वर्स 6 ◆ अंक 272 ◆ पानां 6 ◆ मोल ₹ 3.00 / पणजी / मडगांव / गोंय REGD NO. G-2/RNP/GOA/28/2017-19 ◆ RNI: GOAKON/2016/69208 epaper.thegoan.net

सोमार 21 मार्च 2022

लोकभाशेंत लोकांचो आवाज

भांगरभूंय

डॉ. सावंतान राजकी नाटक रचलां

» 2

» 6

शेन वॉर्नाचेर मेलबर्नांत निमाणे संस्कार

› तिठ्यार

हिजाब प्रकरणांत निकाल दिवपी न्यायाधिशांक 'वाय' दर्जाची सुरक्षा

बंगळुरू: हिजाब प्रकरणांत निकाल दिवपी कर्नाटक उच्च न्यायालयाच्या न्यायाधिशांक जिवेशी मारपाची धमकी दिले उपरांत तांचे सुरक्षेंत वाड केल्या. सरन्यायाधीश ऋतुराज अवस्थी हांकां आतां 'वाय' दर्जाची सुरक्षा दिल्या. धमकी दिवपी दोन आरोपींक तामीळनाडू पुलिसांनी शेनवारा अटक केल्या. तिरुनेलवेली हांगा कोवई रहमतुल्लाक अटक केल्या, जाल्यार 44 वर्सां पिरायेचो एस जमाल मोहम्मद उस्मानी हाका तंजावरांत ताब्यांत घेतला. न्यायालयान हिजाब प्रकरणांत निर्णय दितना वर्गांत हिजाब घालपाचेर घाल्ली बंदी कायम दवरल्या.

केरळांत गॅलरी कोसळून 200 लोक जखमी

मलाप्पुरम: फुटबॉल मॅच पळोवपा खातीर आयिल्ल्या शेंकड्यांनी लोकांचेर गॅलरी कोसळिल्ल्याची धक्को दिवपी घडणूक घडली. वंदूर जिल्ह्यांतल्या मलाप्पुरम हांगासरल्या पुंगूड हांगा हो अपघात जालो. हे घडणुकेंत सुमार 200 लोक जखमी जाल्यात. हातूंत पांच जाणांची भलायकी गंभीर आसा. शेनवारा रातीं 9 वरांचेर ही घडणूक घडिल्ल्याची म्हायती पुलिसांनी दिली. सगल्या जखमींक लागींच आशिल्ल्या हॉस्पिटलांत दाखल केल्यात.

पंजाबच्या मंत्र्यांक दितले टार्गेट: अरविंद केजरीवाल

चंदिगड: आपचे फुडारी भगवंत मान हांणी पंजाबाच्या मुख्यमंत्रीपदाचो सोपूत घेतले उपरांत विकासाचे नदरेन मोटें काम जातलें अशी आस्त थळाव्या लोकांक आसा. मुख्यमंत्रीपदाचो कारभार हातांत घेतले उपरांत भगवंत मान हांणी कांय लोकप्रीय निर्णय लेगीत घेतल्यात. मजगतीं, आपचे सर्वेसर्वा तशेंच दिल्लीचे मुख्यमंत्री अरविंद केजरीवाल हांणी पंजाबचे मंत्री तशेंच आपच्या आमदारांक काल (आयतारा) संबोधीत केलें. दरेक मंत्र्याक विकासकामा खातीर एक टार्गेट दितले अशें केजरीवाल हांणी मंत्र्यांक सांगलां.

एन बिरेनसिंह परतून मणिपूरचे मुख्यमंत्री

इंफाळ: एन बिरेनसिंह हेच परतून एकदां मुख्यमंत्री जातले हें आतां स्पश्ट जालां. भाजपा विधीमंडळ पक्ष फुडारीपदार काल (आयतारा) तांची एकमतान निवड जाली. बिरेनसिंह हे सेगीत दुसरे फावटी मणिपूरांतल्या भाजपाच्या सत्तेची सुत्रां स्विकारतले. केंद्रीय निरिक्षक निर्मला सीतारामन आनी किरेन रिजिजू हांचे हाजिरेंत जाल्ले बसकेंत तांची निवड केल्या. सोपूतविधी केन्ना जातलो हाची म्हायती मुखार आयिल्ली ना.

› संपादकीय

लायटीची गाडी

› तापमान

चडांत चड	32.00
उण्यांत उणें	26.00

› दावखूल

महेश दिवेकार

स्वातंत्र्य मेळून 75 वर्सां जायत आयलीं तरी आमचे 75 टक्के लोक गरीब कित्याक, हाचेर कोणे सिनेमा काडला रे बाबा?

भारतीय जनता पक्ष आयज करतलो सरकार स्थापनेचो दावो

मगोच्या तेंक्या विशीं आयज निर्णय

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : विधीमंडळ गटाची बसका जाले उपरांत भारतीय जनता पक्ष आयज राज्यपालांची भेट घेवन सरकार स्थापन करपाचो दावो करतलो. निकालाच्या धा दिसां उपरांत भाजप आयज सरकार स्थापनेचो दावो करतलो. महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाचो तेंको घेवचो काय ना, हे विशीं भारतीय जनता पक्ष आयज निर्णय घेतलो अशी म्हायती प्रदेश भाजप अध्यक्ष सदानंद शेट तानावडे हांणी दिली.

पत्रकार परिशदेंत उलयतना सदानंद शेट तानावडे. कुशीक सिद्धार्थ कुंकळयेंकार

- भाजप विधीमंडळ पंगडाची आयज बसका
- बसके उपरांत विधीमंडळ फुडाऱ्याची घोशणा
- केंद्रीय निरिक्षक आयज गोंयांत

ते काल पत्रकार परिशदेंत उलयताले. ह्या वेळार तांचे बरोबर आदले आमदार सिद्धार्थ कुंकळयेंकार हाजीर आशिल्ले. गोंयांत 14 फेब्रुवारीक विधानसभा वेंचणूक जाले उपरांत 10 मार्चाक मतमेजणी जाली. मतमेजणेक धा दीस पुराय जाले उपरांत आयज भाजप विधीमंडळ पंगडाची बसका जाता. आमदारांचो सोपुतविधी जाल्लो आसलो तरी अजून भारतीय जनता पक्षान सरकार स्थापन करपाचो दावो करूंक ना.

भारतीय जनता पक्षाच्या विधीमंडळ पंगडाची बसका आयज सांजे 4 वरांचेर जातली. हे बसकेक केंद्रीय निरिक्षक नरेंद्रसिंग तोमर, एल. मुरूगन, देवेंद्र फडणवीस, सी. टी. रवी हाजीर रावतले. बसकेंत विधीमंडळ फुडाऱ्याची निवड जातली. विधीमंडळ फुडाऱ्याची निवड जाले उपरांत राज्यपालांची भेट घेवन सरकार स्थापन करपाचो दावो जातलो. धा दिसां उपरांत भाजपा आयज सरकार स्थापन करपाचो दावो करतली.

मगोच्या तेंक्या विशीं आयज निर्णय

मगोच्या तेक्या विशीं चर्चा जावन आयज निर्णय जातलो. मगो पक्षान सरकाराक विनाअट तेंको जाहीर केला. मगोचो तेंको घेवपाक

➔ पान 2 चेर

सोपुतविधीक प्रधानमंत्र्यांची उपस्थिती शक्य

सोपुतविधी सुवाळ्याची तारीख अजून निश्चीत जावंक ना. सोपुतविधी सुवाळो भव्य स्वरुपांत डॉ. श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडियमाचेर जातलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची उपस्थिती शक्य आसा. प्रधानमंत्री हाजीर रावंक शकले नात, जाल्यार केंद्रीय गृह मंत्री अमीत शाह वा हेर केंद्रीय फुडारी सोपुतविधी सुवाळ्याक हाजीर रावतले, अशें तानावडे हांणी सांगलें.

मुख्यमंत्रीपदा विशीं सस्पेन्स कायम

अमीत शाहन घेतली डॉ. प्रमोद सावंत, विश्वजीत हांची बसका

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : मुख्यमंत्रीपदा खातीर भोवतेक आमदारांचो डॉ. प्रमोद सावंत हांकां तेंको आसलो तरी मुख्यमंत्रीपदा विशीं सस्पेन्स कायम आसा. काळजीवाहू मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी विश्वजीत राणे हांची दोगांची बसका दिल्लींत केंद्रीय गृह मंत्री अमीत शाह हांणी घेतली. हे बसके उपरांत डॉ. प्रमोद सावंत गोंयांत आयले विश्वजीत राणे मात अजुनूय दिल्लींत आसात.

आतां विश्वजीत राणे हांच्या नांवाची चर्चा सुरू आसा. 23 मार्चाक विश्वजीत राणे हांचो जल्मदीस आसा. विश्वजीत राणे हांच्या जल्मदिसा तांकां पक्षा कडल्यान भेट मेळटली, अशी चर्चा आसा. कांय दिसां पयली हिमाचल प्रदेशाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांणी प्रधानमंत्री तशेंच राष्ट्रपतींची भेट घेतिल्ली. राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हे 22 मार्चाक गोंयांत येतात. तांचे गोंय भेटी विशीं तरेकवार चर्चा आसा. मुख्यमंत्रीपदा खातीर डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत राजेंद्र आर्लेकार तशेंच विश्वजीत राणे हांच्या नांवाची चर्चा आसा.

विधीमंडळ फुडाऱ्याची निवड करपा खातीर आयज पणजेंत भाजप आमदारांची बसका जातली. हे बसकेक केंद्रीय निरिक्षक नरेंद्रसिंग तोमर आनी एल. मुरूगन हाजीर आसतले. ह्या निरिक्षकां सयत विश्वजीत राणे गोंयांत येतले. हाका लागून विश्वजीत राणे हांच्या नांवाचे चर्चेन नेट धरला.

ह्या सप्तकांत काळजीवाहू मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी प्रदेश अध्यक्ष सदानंद शेट तानावडे हांचे सयत दिल्लींत वचून राष्ट्रीय अध्यक्ष जे पी नड्डा हांची भेट घेतली. ह्या वेळार केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी तशेंच अमीत शाह हांची भेट घेतली. ही भेट जाले उपरांत शेनवारा विश्वजीत राणे आनी डॉ. प्रमोद सावंत हे दोगूय दिल्लींत गेले. रातीं उसरां मेरेन ह्या दोगांय मदीं केंद्रीय मंत्री अमीत शाह हांणी बसका घेवन चर्चा केली. हे बसके उपरांत आयतारा डॉ. प्रमोद सावंत गोंयांत पावले. विश्वजीत राणे मात अजुनूय दिल्लींत आसात.

डॉ. प्रमोद सावंत हे गोंयांत पावले उपरांत पक्षान सोमारा विधीमंडळ बसका घेवपाचो निर्णय जाहीर केलो. विधीमंडळ फुडाऱ्याचो निर्णय जाहीर जातकूच सरकार स्थापनेचो दावो पक्ष करतलो.

आयतारा रातीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी गृह मंत्री अमीत शाह हांचे मदीं एक म्हत्वाची बसका जाली. गोंय तशेंच हेर राज्यांच्या मुख्यमंत्रीपदाची निवड जावपा विशीं ही बसका म्हत्वाची थारता.

हिमाचल प्रदेशाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार मंगळारा गोंयांत

मंत्रिपदाचे दावेदार वाडत आसले तरी मुख्यमंत्रीपदा विशीं अजून निर्णय जावंक नाशिल्ल्या कारणान भाजपाचे आमदार लेगीत बेजारल्यात. आमदार मॉवीन गुदिन्हो हे लेगीत मुख्यमंत्रीपदा खातीर इत्सूक आसात. तरी तांच्या नांवाचो विचार पक्षान करूंक ना.

डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या मुख्यमंत्रीपदाक 3 वर्सां पुराय

पक्ष दिता ती जापसालदारकी स्विकारतलों

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

पणजी : डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मुख्यमंत्री म्हूण कार्यभार सांबाळपाचे घडणुकेक आयतारा तीन वर्सां पुराय जालीं. मनोहर पर्रीकार हांच्या मरणा उपरांत 20 मार्च 2019 दिसा रातीं कडेन तांचो सोपुतविधी जाल्लो.

सद्या ते काळजीवाहू मुख्यमंत्री आसात. तीन वर्सां उपरांत आतां मुख्यमंत्र्यांची निवड करपा खातीर भाजप आमदारांची बसका जाता. पक्ष जी कितें जापसालदारकी दितलो, ती हांव स्विकारतलों. आयज विधीमंडळ फुडाऱ्याची निवड जातली अशी म्हायती डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.

मुख्यमंत्री म्हूण तीन वर्सां गोंयच्या लोकांची सेवा करपाची संद मेळ्ळी म्हूण तांणी उपकार मानले. डॉ. प्रमोद सावंत हे सांखळी मतदारसंघातल्यान 2012चे वेंचणुकेंत सगल्यांत पयली

> *म्हज्या मुख्यमंत्रीपदाक तीन वर्सां पुराय जाल्यात. विधीमंडळ फुडाऱ्याची निवड आयज जाता. पक्ष दिता ती जापसालदारकी हांव पुराय करतलों.*
> — डॉ. प्रमोद सावंत

वेंचून आयले. वेंचणुके उपरांत सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार मुख्यमंत्री जाले. डॉ. प्रमोद सावंत हे तेन्ना मुळाव्या साधन सुविधा उदरगत म्हामंडळाचे उपाध्यक्ष आशिल्ले. 2017चे वेंचणुकेंत ते सांखळी मतदारसंघातल्यान दुसरे खेपे वेंचून आयले.

मनोहर पर्रीकार मुख्यमंत्री जाले आनी तांची सभापतीपदार निवड जाली. 17 मार्च 2019 दिसा मुख्यमंत्री आसतनाच मनोहर पर्रीकार संवसाराक अंतरले. हाचे उपरांत सभापती आशिल्ले डॉ. प्रमोद सावंत हांची भाजप विधीमंडळ फुडारी म्हूण निवड जाली आनी ते मुख्यमंत्री जाले. ते मुख्यमंत्री जाले उपरांत पणजे सयत चार मतदारसंघांनी पोटवेंचणुको जाल्यो. चारां मदल्या तीन सुवातांचेर भाजप उमेदवार जैतिवंत जाले. पोटवेंचणुके पयली मगोच्या दोन आमदारांक भाजपांत घेवपा सयत सुदिन ढवळीकार हांकां तांणी मंत्रिमंडळातल्यान काडून उडयले.

2020 वर्सा गोवा फॉरवर्डाच्या मंत्र्यांक सरकारांतल्यान काडून उडोवन कॉंग्रेसीच्या धा आमदारांक तांणी भाजपांत प्रवेश दिलो. आत्मनिर्भर भारत येवजणे प्रमाण स्वयंपूर्ण गोंय ही मोहीम तांणी सुरू केली. तशेंच वेंचणुके पयली सरकार तुमच्या दारांत ही मोहीम तांणी सुरू केली. ते मुख्यमंत्री आसतना विधानसभा वेंचणूक जावन पक्षाक वीस जागे मेळ्ळे.

वास्को बस-मोटारसायकल अपघातांत दोगांक मरण

अपघातांत सांपडिल्ली मोटारसायकल

अखिलेश गांवस

गौतम वेळुस्कार

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

वास्को: बिट्स पिलानी हांगा आयतारा सांजवेळा पावणेसात वरांच्या सुमाराक एके कंपनीचे बशीक गतीन येवपी मोटारसायकलीचो धपको बशिल्ल्यान दुचाकीचालक आनी फाटल्यान बशिल्लो तरणाटो ह्या दोगांकूय मरण आयलें. मरण आयिल्ल्या तरणाट्यांचीं नांवां अखिलेश गांवस (18, सडा), गौतम वेळुस्कार (19) अशी आसात. ह्या अपघाता उपरांत दुचाकीन उसळून रस्त्याचे दुसरे वटेन वचपी पारूल नायक हे बायलेक धपको दिल्ल्यान तिचो पांय फ्रॅक्चर जालो. तिका उपचारा खातीर चिखली उपजिल्हो हॉस्पिटलांत दाखल केल्या.

ह्या अपघात प्रकरणांत वेर्णा पुलिसांनी बसचालका आड गुन्यांव दाखल केला. अपघाता उपरांत बसचालकान थंय सावन धांव मारिल्ल्यान ताचो सोद घेत आसात.

पुलिसांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण अखिलेश आनी गौतम हे दोगूय जाण मोटारसायकलीन विमानतळ मार्गान बिट्स पिलानी कॅम्पसा कुशीक पाविल्ले तेन्ना तांचे मुखार आशिल्ले एके कंपनीचे बशीन व्हॉल्त घेतलें. ताका लागून बशीक तांचे मोटरसायकलीचो धपको बसलो. मोटारसायकली वयले दोगूय जाण उसळून रस्त्यार पडले, जाल्यार मोटरसायकल उसळून रस्त्याचे कुशीक वचून पडली.

मोटारसायकली वयलो एकलो बशीक नेटान आपटल्ल्यान बशीच्या पत्र्याक रगत लागिल्लें. गंभीर जखमी जाल्ल्या त्या दोगांकूय उपचारा खातीर 108 ॲम्ब्युलन्सीन चिखली उपजिल्हो हॉस्पिटलांत व्हेले. पूण थंय तांकां मरण आयिल्ल्याचें घोशीत केलें.

त्या दोगां मदल्या एकल्यान आपल्या इश्टाची मोटारसायकल चलोवपा खातीर व्हेल्ली. ह्या अपघाता उपरांत बसचालकान धांव मारिल्ल्यान पुलिसांनी बशीच्या धनयाक आपयलें. ताणें आनी पुलिसांनी बसचालकाचो सोद सुरू केला. ह्या प्रकरणांत वास्कोचे पुलीस उपअधिक्षक सलीम शेख हांच्या मार्गदर्शना खाला वेर्णा पुलीस फुडलो तपास करतात.

संस्कृती आनी साहित्याचो भोवमान हें निरोगी समाजाचें लक्षण: पै

विश्व कोंकणी साहित्य आनी सेवा पुरस्कारांचें वितरण

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

मंगळुरू: भास, संस्कृती आनी साहित्य मळार काम करतात तांचो जाय तसो मान राखल्यार समाजाची प्रगती जायत वता अशें मणिपाल ग्लोबल एज्युकेशनाचे अध्यक्ष टी वी मोहनदास पै हांणी सांगलें. मंगळुरचे विश्व कोंकणी केंद्र आनी कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिश्ठानान आयज (आयतारा) आयोजीत केल्ल्या विश्व कोंकणी साहित्य पुरस्कार वितरण कार्यावळींत ते उलयताले.

हे कार्यावळींत कोंकणीतलो दुसरो ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतिवंत

विश्व कोंकणी साहित्य पुरस्कार फावो जाल्ले उदय म्हांबरो, अँथनी बारकुट, जीवन सिद्धी सन्मान फावो जाल्ले सुरेश बोरकार आनी बस्ती वामन शेणय सेवा पुरस्कार फावो जाल्ले डॉ पद्मनाभ कामत आनी कोरीन रास्कीन हांचे वांगडा नंदगोपाळ शेणय, दामोदर मावजो आनी हेर मानेस्त.

दामोदर मावजो हांचे हस्तुकीं उदय म्हांबरो आनी अँथनी बारकुट हांकां विमला व्ही पै यादस्तीक विश्व कोंकणी साहित्य पुरस्कार, सुरेश बोरकार हांकां विश्व कोंकणी जीवन सिद्धी सन्मान तशेंच श्रीमती कोरीन रास्कीन आनी डॉ पद्मनाभ कामत हांकां बस्ती वामन शेणय

➔ पान 2 चेर

वा... वा.... किती आनंद झाला.....

'भांगरभूंय' चो तिसरो होळी अंक आयलो, पावलो बाजारांत...

वांगडा साहित्य, कविता, लघुकादंबरी.....
आपल्या लागींच्या दिसाळीं विकपी एजंटाक
एक प्रत आयजूच राखून दवरपाक सांगात.

बुकिंगा खातीर संपर्क

सत्तरी, बार्देस, पेडणें, दिवचल- 9075760380,
फोंडे, मुरगांव- 9764601026, तिसवाडी- 9545690667,
सांगे, केपें, काणकोण, साश्ट- 9922582700,
कार्यालय- 2405988

कोंकणी होळी अंक वाचुया... शिगमो, होळी फुलोवया

डॉ. सावंतान राजकी नाटक रचलां

दिगंबर कामत: मुरगांव मारपेट प्रकरणांतले अटक सत्र बंद करात

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

मुरगांव: काळजीवाहू मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंतान मुरगांवां येवन राजकी नाटक रचलां. विधानसभा वेंचणुकेंत हारिल्ले भाजपाचे उमेदवारां कडेन हार पचोवपाची ताकद सोंपिल्ल्यान निरशेल्यात. हेच खातीर काँग्रेसीक तेंको दिवपी लोकांक त्रास दिवप, गाळी संवप, अशें प्रकार सुरू केल्यात, अशें दिगंबर कामत हांणी सांगलें.

धुळवडी दिसा मुरगांवां दोन गटांत जाल्ल्या मारपेट प्रकरणा संबंदान काँग्रेसीचे मडगांवचो आमदार दिगंबर कामत, कळंगुटचो आमदार मायकल लोबो, कुंकळीचो आमदार युरी आलेमांव, केपेचो आमदार कार्लुस फरेरा तशेंच मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार हांणी मुरगांव पुलीस स्टेशनाचेर येवन काँग्रेस कार्यकर्त्यांक अटक करपाचें कारण विचारलें. ह्या वेळार उपअधिक्षक शेख सलीम आनी निरिक्षक अजीत उम्रे हांचेर सगळ्या आमदारांनी प्रस्नांचो शिंवर केलो. तांकां गरजे भायर राजकराण करून अटक करपाचें सत्र बंद करात अशी तांणी मागणी केली. हाचेर जाप दितना शेख सलीम हाणें सांगलें, आपूण कायद्या प्रमाण सगळी प्रक्रिया करता. हे दंगलींत वांटेकार नाशिल्यांक कसलोच त्रास दिनात, अशेंय ताणें सांगलें.

कारणा बगर अटक केल्ल्यांक तशेंच आरोप दाखल केल्ल्यांची ताकतिकेन सुटका करा, ना जाल्यार ह्या प्रकरणाक वेगळेंच वळण मेळटलें, अशी शिटकावणी आमदारांनी ह्या वेळार दिली.

शुक्रारा धुळवडी दिसा मुरगांव मतदारसंघांत राजकी पक्षांच्या समर्थकां मदीं मारपेट जाल्ल्यान वातावरण खूब तणावाचें जालां. मुरगांवचो नगरसेवक प्रजय मयेंकाराचो बापूय प्रदीप मयेंकार हो घरा येतना ताचेर सुमार चाळीस ते पन्नास जाणांनी हल्लो केल्लो. ह्या हल्ल्याक लागुन ताका उपजिल्हो हॉस्पिटलांत दाखल केला. ह्या प्रकरणांत मुरगांव पुलिशेन 9 जाणांक अटक केल्या तशेंच हेर 38 जाणांचो सोद घेतात.

मजगतीं, ह्या प्रकरणाक राजकी स्वरूप आयलां. हल्ल्याचे राती भाजपाचो संघटण मंत्री सतीश धोंड, ॲड. नरेंद्र सावयकार, वास्कोचो आमदार दाजी साळकार हांणी मुरगांव पुलीस स्टेशनाचेर वचून हल्लेखोरांक अटक करपाची मागणी केल्ली. ते प्रमाण ते रातच्यान शेनवार मेरेन 9 जाणांक अटक केल्ली. तशेंच शेनवारा काळजीवाहू मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत तशेंच पुलीस संचालक आय. डी. शुक्ला हांणी हॉस्पिटलांत वचून जखमी मयेंकाराची भेट घेतिल्ली. ते उपरांत दोशींचेर खर कारवाय जातली, कोणाक सोडचे नात, अशी शिटकावणी दिल्ली. तशेंच काँग्रेसीन तृणमूल काँग्रेस पक्षाची मारपेट करपाची संस्कृती आपणायल्या, अशी टिका डॉ. सावंतान केल्ली.

मजगतीं, अटक केल्ल्यांचीं घरचीं पुलीस स्टेशना भायर जमिल्लीं. अटक सत्र अजून चालूच आसा. काँग्रेस फुडाऱ्यांनी ताचो निशेध केलो.

मुरगांव पुलीस स्टेशना भायर अटक केल्ल्यांच्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांची वासपूस करतना काँग्रेस आमदार संकल्प आमोणकार आनी हेर. (मिलिंद काकोडकार)

निर्दोश मनशांक त्रास दिवप सारकें न्हय: कामत

भाजपा उमेदवारांक आपली हार पचोवप चड जाल्या. राजकी फायदो घेवन निर्दोश मनशांक त्रास दिवप सारकें न्हय. लोकशायेंत कोणे कोणाक आदार करचो, हाचो अधिकार सगळ्यांक आसा. पुलिसांनी कायद्या भायर वच्चें न्हय, आनी कारण नासतना चेपणा खाला येवन काम करचें न्हय, अशें दिगंबर कामत हाणें सांगलें.

विधानसभेंत आवाज काडटले: लोबो

संकल्प आमोणकाराच्या कार्यकर्त्यांक अटक करून तांकां कितें मेळोवपाचें आसा तें खबर ना. भाजपा फुडाऱ्यांक आपली हार मानून घेवप कठीण जाल्या. आमी हाचेर विधानसभेंत आवाज काडटले. गरज नासतना हें प्रकरण व्हड करपाचें कारस्थान भाजपान रचलां. डॉ. प्रमोद सावंतान लोकांच्या जिवा कडेन खेळचें न्हय, अशें मायकल लोबोन सांगलें.

सोकारती गायन कार्यशाळेचें उक्तावण करतना कृष्णा गांवस आनी हेर मानेस्त.

सोकारती गायनाचें संवर्धन गरजेचें

कृष्णा गांवस: चरावण्या खाशेले कार्यशाळेचें आयोजन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

वाळपय: सोकारती गायन कला गोंयच्या कांय थारावीक वाठारांनीच जिवीत उरल्या. सोकारती गायनाच्या माध्यमांतल्यान सांस्कृतीक संचिताचें संवर्धन करपाचो वावर गांवगिऱ्या वाठारांतल्या लोकांनी केलां. सोकारती गायनाचें संवर्धन करपाचे नदरेंतल्यान वावर जावप खूब गरजेचें आसा, अशें सोकारती गायक कृष्णा गांवसान सांगलें.

चरावणे वाठारांत आयोजीत केल्ले सोकारती गायन कार्यशाळेच्या उक्तावण सुवाळ्यांत तो उलयतालो.

हे कार्यशाळेंत गांवांतल्या ज्येश्ठ नागरिकांनी सोबीत तरेन सोकारती गायन सादर करून लोकांचीं काळजां जिखलीं. ही आगळी वेगळी कार्यावळ पळोवपा खातीर गांवांतले लोक आनी सरभोंवतणच्या गांवांतल्या लोकांनी व्हड गर्दी केल्ली.

सम्राट क्लब सांखळी तशेंच संस्कार क्रिडा सांस्कृतीक क्लब चरावणे हांच्या जोडपालवान हे कार्यशाळेचें आयोजन केल्लें. चरावणेंच्या श्री सांतेरी केळबाय देवस्थानाच्या प्राकारांत दिवली पेटोवन आनी ढोल ताशांच्या गजरांत कार्यशाळेचें उक्तावण जालें. ह्या वेळार माचयेर सम्राट क्लब सांखळीचो अध्यक्ष कृष्णा गांवस, सचीव तनुजा शिरोडकार, भांडारी शांताराम काणेकार, वांगडी गुरुदास गांवस, ज्योत्स्ना गांवस, गणेश गांवकार, संस्कार क्रिडा आनी सांस्कृतीक क्लब चरावणेचो अध्यक्ष चंद्रू गांवस, गांवचे गांवकार गुणाजी गांवस, महादेव गांवस, गोपाळ गांवस, अर्जुन गांवस आनी पंच प्रजिता सुभाष गांवस हाजीर आशिल्ली.

सम्राट क्लब सांखळीचो अध्यक्ष कृष्णा गांवसान प्रास्ताविकाच्या उलोवपांत सम्राट क्लबाचीं ध्येय धोरणां सांगलीं. तशेंच थोडे भितर शिगम्यांतल्या सती- करवली हाचो इतिहास सांगलें. प्रत्यक्ष कार्यशाळेक सुरवात करचे खातीर गायक मार्गदर्शकांक मानाचो फेटो बांदलो. हातूंत मार्गदर्शक गायक नारायण विष्णू गांवस, महादेव विश्राम गांवस ,महादेव रघू गांवस, रत्नाकर रामा नायक, राजा महादेव गांवस, उत्तम गांवकार, शंकर गांवकार, सखाराम गांवकार, राजा विष्णू गांवस (ढोल), रघू महादेव गावस व कासोळे रत्नाकर नायक (तासो) हांचो आसपाव आशिल्लो.

कारणा बगर लाखाचें लुकसाण केल्ल्या प्रकरणांत दुबावितांक अटक

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

वाळपय: सत्तरी म्हालांतल्या खोतोडा वाठारांत दुचाकी आनी घराचें लाखांनी रुपयांचें लुकसाण केल्ले प्रकरणांत पुलिसांनी बाळू उर्फ भावेश घोलकाराक अटक केल्या. हो प्रकार आयतारा 20 मार्चाक दनपारां 3.30 वरांच्या सुमाराक घडलो.

हे विशींची म्हायती अशी, खोतोड्यां दुर्गेश नायकाच्या घरा मुखार आशिल्ले दुचाकीचेर बाळू घोलकारान पयलो हल्लो केलो आनी तिचें व्हड प्रमाणांत लुकसाण केलें. ते उपरांत घरा मुखार आशिल्ले तुळशीचें लुकसाण केलें. ते उपरांत ताणें घराच्या फुडल्या भागाचें व्हड प्रमाणांत लुकसाण केलें.

हे संदर्भांत दत्तू नायकान वाळपय पुलीस स्टेशनाचेर कागाळ नोंद केली. पुलिसांनी हे संबंदांत खोलायेन चवकशी करून घोलकाराक अटक केली.

दुर्गेश नायकान हे संबंदान अदीक म्हायती दितना सांगलें, हो प्रकार दनपारां 3.30 वरांच्या सुमाराक घडलो. अचकीत बाळू घोलकार कुराड घेवन आपल्या घरा मुखार आयलो आनी घरा मुखार पार्क केल्ले दुचाकीचेर ताणें हल्लो केलो. ह्या वेळार घरांतल्या लोकांनी ताका आडावपाचो यत्न केलो, पूण तो येसस्वी जालो ना. ते उपरांत तुळशीचें लुकसाण केलें. इतल्यारूच रावनासतना घराच्या फुडल्या भागाचेंय ताणें व्हड प्रमाणांत लुकसाण केलें. आदले दुस्मानकायेंतल्यान हो प्रकार जाल्ल्याची शक्यताय ताणें न्हयकारली.

घोलकारा वांगडा आपलो कसलोच वाद ना. मात ताणें अचकीत केल्ल्या हल्ल्याक लागून आपल्याक सुमार एका लाखाचें लुकसाण जालां.

घोलकार सोरो पियेवन आयिल्लो. अशेच तरेन ताणें गांवांतल्या खूब जाणांचें लुकसाण केलां. पुलिसांनी ताचो सासणाचो बंदोबस्त करचो, अशी मागणी दुर्गेश नायकाच्या कुटुंबान केल्या.

दुबावितान केल्लें दुचाकीचें लुकसाण.

कारवाये खातीर करतलों यत्न: दुर्गेश नायक

बाळू घोलकाराचें घर आपल्या शेजाराक आसा. ताका लागून आपल्या कुटुंबाक ताचे पसून धोको आसा. हे खातीर पुलिसांनी याची गंभीरपणान दखल घेवन ताचो ताकतिकेन बंदोबस्त करचो. हे संबंदांत आपूण वरिश्ठ अधिकाऱ्यां मेरेन वतलों आनी ताचेर कारवाय जावची हे खातीर यत्न करतलों, अशें दुर्गेश नायकान सांगलें.

उडयिल्ल्या अर्भकाची आवय सांपडली

आवय सयत पालकां आड गुन्यांव दाखल

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी: नेरूल दर्यादेगे लागसार पांच दिसांचें अर्भक सांपडिल्लें. ह्या प्रकरणांत पर्वरी पुलिसांनी आंकवार आवय सयत तिच्या आवय बापाय आड गुन्यांव दाखल केला.

पर्वरी पुलिसांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण, 15 मार्चाक एका नेपाळी नागरिकाक नेरूल दर्यादेगे लागसार भुरगें रडपाचो आवाज आयकुपाक आयलो. ते उपरांत ताणें सोद घेतलो जाल्यार ताका खंय अर्भक सांपडलें. ते उपरांत हे विशीं पुलिसांक म्हायती दिली. ताची दखल घेवन पुलीस घडणुकेचे सुवातेचेर गेले आनी तांणी अर्भकाक ताब्यांत घेवन हॉस्पिटलांत दाखल केलें. ह्या प्रकरणांत पर्वरी पुलिसांनी अज्ञात मनशा आड गुन्यांव दाखल करून अर्भकाचो फोटो सोशल मिडियाचेर व्हायरल केलो.

मजगतीं, हे विशींची म्हायती मेळटाच म्हापशेंच्या उत्तर गोंय जिल्हो हॉस्पिटलांत सेवा दिवपी नर्सींनी अर्भकाक वळखलें आनी तांणी पर्वरी पुलिशेंत संपर्क सादलो. ते उपरांत पुलिसांनी हॉस्पिटलांतल्यान म्हायती मेळयली आनी आवयचो सोद घेतलो. ते उपरांत पुलिसांनी त्या अर्भकाचे आवय सयत तिच्या आवय बापाय आड गुन्यांव दाखल केला.

मजगतीं, संबंदीत कुटुंब उत्तर प्रदेशांतलें आसा. ते अर्भकाचे आवयचें एका तरणाट्यां वांगडा मोग संबंद आशिल्लो. ते उपरांत ती चार म्हयन्यांची गुरवार जाले उपरांत हो प्रकार उजवाडाक आयलो. ते उपरांत संबंदीत तरणाट्यान तिचे कडेन लग्न करपाक न्हयकार दिले उपरांत तिका गोंयांत हाडिल्ली. मजगतीं हॉस्पटलांत ती बाळंत जाले उपरांत कुटुंबियांनी अर्भकाक नेरूल दर्यादेगेर व्हरून दवरिल्ल्याची म्हायती पुलीस तपासांत उजवाडाक आयली.

तापमान वाडिल्लें आसतानाच पावस पडटलो

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी : उण्या दाबाचो पट्टो तयार जाल्ल्यान गोंयांत येता 3 ते 4 दीस पावस पडटलो. 23 तारखे उपरांत खूबशा वाठारांनी पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. आयतारा दीसभर उकाडो जातालो तरी सकाळीं दमट हवामान आशिल्लें.

वातावरणांत सदांच बदल जावपाक लागला. शेनवारा मडगांव तशेंच सत्तरी वाठारांत पावस पडलो. मडगांवां सगल्यांत चड 20 मिमि पावसाची नोंद जाली. सत्तरी वाठारांत शेनवारा मोटो पावस पडलो. ह्या पावसा उपरांत आयतारा सकाळीं दमट हवामान आशिल्लें. दनपारां उपरांत सुर्यप्रकाशाचें दर्शन जालें. दिसाचें सरासरी तापमान 28 ते 30 अंशा मदीं आशिल्लें. चडांत चड 33.8 अंश तापमानाची नोंद जाल्या.

गोंयांत उण्या दाबाचो पट्टो तयार जावपाची शक्यताय आसा. ह्या पट्ट्याक लागून 23 मार्च उपरांत दोन ते तीन दीस पावस पडटलो. चडांत चड तापमान 34 अंश आसतलें.

फाटल्या सप्तकांत सेगीत दोन दीस तापमान 35 अंशा परस चड आशिल्लें. उपरांत तें मात्शें देंवलें. तापमान देंविल्लें आसलें तरी उकाडो खूब जाता.

अंदूं उसरां मेरेन पावस पडलो. शीं उसरां सुरू जालें. फेब्रुवारी मेरेन शीं पडटालें. म्हाशिवरात्री उपरांत तापमान वाडपाक सुरवात जाली. चडांत चड तापमान 37 अंशा मेरेन नोंद जालां.

मदींच पडपी पावसाक लागून काजी तशेंच आंब्याचें लुकसाण जाता. अंदूं काजी उसरां जाल्यांत. पावसाक लागून पीक आनीक उणें जावपाची भिरांत आसा.

'राजस्थान हेंडलूम ॲण्ड हॅण्डीक्राफ्ट मेळावो मेक इन इंडियाची बरी देख'

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

मुरगांव: भारताच्या साबार राज्यांतल्या कलाकारांनी तयार केल्ल्यो विविध वस्तू वास्को राजस्थान हेंडलूम ॲण्ड हॅण्डीक्राफ्ट मेळाव्या अंतर्गत टुरिस्ट हॉस्टेलाच्या सभाघरांत मांडल्यात. त्यो खरेदी करपाची बरी संद वास्कोकारांक मेळ्ळ्या. राजस्थान हेंडलूम ॲण्ड हॅण्डीक्राफ्ट हें मेक इन इंडियाची एक बरी देख आसा. देशाच्या विविध राज्यांतल्या कलाकाराक उर्बा दिवचे खातीर वास्कोकारांनी तांकां तेंको दिवपाची गरज आसा, अशें वास्कोचो आमदार दाजी साळकारान सांगलें.

वास्कोच्या टुरिस्ट हॉस्टेलांत ह्या प्रदुर्शनाचें उक्तावण 19 मार्चाक साळकाराचे हस्तुकीं जालें. हें प्रदर्शन 3 एप्रील मेरेन चलतलें. उक्तावणा वेळार साळकारा वांगडा नगरसेविका शमी साळकार, नगरसेवक गीरीश बोरकार, राजस्थान हेंडलूम ॲण्ड हॅण्डीक्राफ्टाचो महावीर चल्लानी, उदय बिंगेकर आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

› पान 1 वयल्यान

भारतीय जनता पक्ष आयज करतलो सरकार स्थापनेचो दावो

नायक, सुभाष शिरोडकार, गोविंद गावडे हांचे सयत खूबशा आमदारांचो विरोध आसा. हाका लागून मगोचो तेंको घेवचो काय ना, हे विशीं पेच निर्माण जाला. मगो तशेंच हेर पक्षांच्या तेंक्या विशीं केंद्रीय फुडारी निर्णय घेतले. हेर पक्ष केंद्रीय फुडऱ्यांच्या संपर्कात आसात, म्हज्या संपर्कात नात अशें सदानंद शेट तानावडे हांणी सांगलें.

तीन अपक्ष आमदारांनी पक्षाक तेंको दिला. हे आमदार आपणा कडेन उलयल्यात. अपक्ष सोडले जाल्यार हेर पक्षांच्या तेंक्या विशीं हांव उलोवंक शकना अशें तानावडे हांणी सांगलें.

काँग्रेसीन पयली अध्यक्ष तशेंच विधीमंडळ फुडाऱ्याची निवड करची

सरकार स्थापनेचो हुस्को करपाचो सोडून काँग्रेसीन पयली विधीमंडळ फुडारी तशेंच प्रदेश अध्यक्षांची निवड करची. सरकार स्थापन जावपाक उशीर जालो, म्हूण लुकसाण जावंक ना. डॉ. प्रमोद सावंत हे मुख्यमंत्री आसात. होळी उत्सवा उपरांत सोपुतविधी करपाचें पक्षान थारायलां. ते प्रमाण आतां सोपुतविधी जातलो. सगल्या राज्यांची सरकारां एका वेळार स्थापन जावची, अशी पक्षाची भुमिका आसा. हाका लागून सरकार स्थापन जावपाक मात्सो उशीर जालो. काँग्रेसीन पयली प्रदेश अध्यक्षाची नेमणूक करची. विधीमंडळ फुडाऱ्याची निवड करची. सरकार स्थापनेचो हुस्को करपाची काँग्रेसीक गरज ना, अशें सदानंद शेट तानावडे हांणी म्हणलें.

संस्कृती आनी साहित्याचो भोवमान हें निरोगी समाजाचें...

सेवा पुरस्कार भेटयले. उदय म्हांबरो हांका 'इंद्रधोणू उदेवं'. ह्या कवितांझेल्या खातीर अँथनी बारकुट हांकां 'मासां' ह्या कथांझेल्या खातीर आनी सुरेश बोरकार हांकां तांच्या कोंकणी व्याकरणांतल्या वावरा खातीर पुरस्कार फावो जाला.

श्रीमती कोरीन ए. रास्कीन आनी डॉ. पद्मनाभ कामत हांकां बस्ती वामन शेणय सेवा पुरस्कारान भोवमानीत केलां. एक लाख रुपया रोख आनी यादस्तीक अशें ह्या पुरस्कारांचें स्वरूप आसा.

श्रीमती रास्कीन हिणे तांच्या व्हायट डोव्ह फावंडेशनाच्या माध्यमांतल्यान समाजांतल्या निराधारां खातीर केल्ल्या वावरा खातीर भोवमानीत केला. डॉ पद्मनाभ कामत हे डोरस्टेप फावंडेशनांतल्या कार्डिओलॉजीचे संस्थापक आसात. गांवगिऱ्या भारतांत काळजा दुयेंस तज्ञ आनी ईसीजी मशिनाचें नॅटवर्क तांणी तयार केलां.

ह्या वेळार उलयतना 2012 वर्सांचो विश्व कोंकणी साहित्य पुरस्कार आपणाक फावो जाल्लो हाची याद करून दितना दामोदर मावजो हांणी तांचे प्रेरणेन आपूण कोंकणी साहित्यांत चड योगदान दिवपाक शकलों आनी ते खातीर देशांतल्या साहित्य मळा वयलो सगल्यांत व्हड असो ज्ञानपीठ पुरस्कार आपल्याक मेळपाक शकलो अशें सांगलें. विश्व कोंकणी पुरस्कार जैतिवंतांक तांणी परबीं भेटयलीं आनी फुडाराक तांच्या हातांतल्यान साहित्य निर्मणी जायत रावूं अशें मागलें.सुरवेक कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिश्ठानाचे अध्यक्ष नंदगोपाळ शेणय हांणी सगल्यांक येवकार दिलो. विश्व कोंकणी केंद्राचे विश्वस्थ मेलवीन रॉड्रिग्ज, रमेश पै, गिलबर्ट डिसोझा, बी आर भट आनी डॉ किरण बुडकुले हांणी पुरस्कार जैतिवंताची वळख करून दिली. कोंकणीक साहित्यीक मळाचे तेंगशेर व्हेल्ले खातीर दामोदर मावजो हांकां टॅम्पल ऑप गोवा, कॉफी टेबल पुस्तक भेटोवन तांचो भोवमान केलो. कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिश्ठानाचे सचीव गिरीधर कामत हांणी सगल्यांचें उपकार मानले

करवल्यांची पुजा करतना घरांतलो एक वांगडी.

शिरोलीचो करवली उत्सव उमेदीन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

केरी-सत्तरी: शिरोली केरी सत्तरींत शिगम्याक उमेदीन सुरवात जाल्या. शिगम्या निमतान दोन दिसांचो करवली उत्सव पळोवपा खातीर आनी आंगवण पावोवपा खातीर सोयरीं धायरीं आनी हेर गांवांतले लोक व्हड संख्येन ह्या उत्सवांत वांटेकार जाल्ले. दोन दिसांच्या करवली उत्सवाक 19 मार्चाक सुरवात जाली.

होळी पुनवेक सांजे वेळार राखण्याची होळी आनी मुख्य होळी काडून दवरली. ते उपरांत रातभर ही कार्यावळ चालू दवरली. होळये दिसा होळी देवळा कडेन हाडून ती आंब्याच्या पानांनी सजयली आनी तिची पुजा केली. ते उपरांत भौशीक गाराणें घातलें. उपरांत ढोल ताशांच्या वादनांत होळी घातली. होळयेच्या सरवय तण घालून ती पेटयली. ते उपरांत आयिल्ल्या भाविकांनी उज्याचो गोबर कपलाक लायलो आनी नाल्ल ओंपले.

सांजे वेळार चोर उत्सव मनयलो. सगळ्या घराघरांनी चोर भोंवले. 'चोरांचे आवयक खावंक घाल गे आवय' अशें म्हणीत सगळे कडेन चोर गेले आनी घराघरांनी पुजा करून तांकां खावपाक दिलें.

19 मार्च सावन करवल्यांच्या माथ्यार आबोल्याची फांती घालून करवल्यो न्हेसोवन घराघरांनी भोंवपाक सुरवात केली आनी राती कडेन वयल्यावाड्यार रोमाट जालें. ह्या रोमटांत पंचक्रोशींतले खूबश्या जाणांनी वांटो घेतलो.

राती कडेन रोमटा वेळार करवल्यो आशीकुशीच्या घरांनी भोंवल्यो. ढोल ताशांच्या तालाचेर सोकारती म्हणीत करवल्यांक गांवांतल्या दरेका घरांनी व्हेल्यो. तांची सवायशिणींनी पुजा केली आनी व्हट भरली. घरांतल्या मनशांचे उदरगती खातीर गाराणें घातलें.

दुसऱ्या दिसा म्हणल्यार 20 मार्चाक सांजे वेळार करवल्यो श्री सांतेरी देवळा कडेन हाडून तांची व्हट भरली. ह्या वेळार आंगवण्यो केल्यो आनी आदल्यो आंगवण्यो फारीक केल्यो. ते उपरांत इंगळ्या वयल्यान करवल्यांक व्हेल्यो.

हडफड्यां अपघातांत एकल्याक मरण

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी: हडफडेंच्या वीज कार्यालया लागसार स्वयं अपघातांत दुचाकी चालक गोविंद छेत्री (मूळ नेपाळ) हाका मरण आयलं. ह्या प्रकरणांत हणजूणें पुलिसांनी असैमीक मरण म्हूण नोंद केल्या.

हणजूणें पुलिसांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण दुचाकी चालक गोविंद छेत्री आनी ताचो इश्ट राजन गौर (आसाम) शेनवारा मध्यान रातीर सुमार 12.30 वरांचेर कळंगूटच्यान हडफड्यांचे दिशेन वताले. ह्या वेळार हडफड्यां वीज कार्यालया लागसार पावताच छेत्रीचो दुचाकी वयलो ताबो गेलो आनी ताणें कुशीक आशिल्ल्या लायटीच्या खांब्याक दुचाकी मोखली.

ह्या अपघाताची म्हायती थळाव्या लोकांनी रोखड्या रोखडी 108 एम्ब्युलन्सीक आनी पुलिसांक दिली. ते उपरांत एम्ब्युलन्सीन येवन तांकां म्हापशेंच्या उत्तर गोंय जिल्हो हॉस्पिटलांत व्हेले. गंभीर जखमी जाल्ल्या छेत्रीक वाटेरूच मरण आयलां, अशें दोतोरांनी सांगलें. ताचू कूड पोस्टमार्टमा खातीर हॉस्पिटलाचे मड्यां कुडींत दवरला.

ह्या प्रकरणांत हणजूणें पुलीस स्टेशनाचो निरिक्षक प्रशल देसाय हाच्या मार्गदर्शना खाला उपनिरिक्षक फ्रान्सिस्को झेवियर्स हाणें मोटार अपघाताची नोंद करून असैमीक मरण म्हूण नमूद केलां.

20 दिसांत कोरोनाचे 10 बळी

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

■ सक्रीय दुयेतींचो आकडो जालो 56

पणजी : फाटले खूबशे दीस एकाय दुयेंतीक मरण येवंक नाशिल्ल्या कारणान कोरोना बळींचो आंकडो सिमीत रावला. मार्चांत 20 दिसांत कोरोनाच्या 10 दुयेंतीक मरण आयलां. कोरोना बळींचो आंकडो 3830 चेर आसा.

11 मार्चाक एका दुयेंतीक मरण आयिल्लें. हाचे उपरांत फाटले 9 दीस कोरोनाच्या एकाय दुयेंतीक मरण येवंक ना. मार्चाचे सुरवेक दिसाक 1 वा 2 दुयेंतीक मरण येतालें. आतां दिसाक कोरोना बळींची स्थिती शुन्याचेर आयल्या.

दर दिसा 5 ते 8 दुयेंती मेळटात. हाका लागून सक्रीय दुयेंतींचो आंकडो देंवत आसा. आयतारा सक्रीय दुयेंती 56 आशिल्ले. कॅसिनो सयत आतां सगले वेव्हार उक्ते जाल्यात. सगले वर्ग सुरू जाल्यात. कोरोना नियंत्रणांत आसलो तरी मास्क घालपा सयत समाजीक पालव राखपाचे निर्देश कायम आसा.

आयतारा 5 दुयेंती मेळ्ळे जाल्यार 4 दुयेंती बरे जाले. दिसाक 603 चांचण्यो जाल्यात. सक्रीय दुयेंती 56 आसा.

शेंकड्यांनी वर्सां आदीं स तरणाट्यांक गांवकारांनी मारिल्ले

झरमें- सत्तरीचो चोर उत्सव उमेदीन

झरमें-सत्तरींतलो परंपरीक पद्दतीन मनयिल्लो चोरोत्सव.

भांगरभूंय | प्रतिनिधी

भाविकांनी घेतलो आगळोवेगळो उत्सव पळोवपाचो आनंद

वाळपय : झरमें-सत्तरीचो नामनेचो चोरोत्सव शेंकड्यांनी भाविकांचे उपस्थितींत उमेदीन आनी परंपरीक पद्दतीन मनयलो. भाविकांनी उत्सवाचो एक आगळोवेगळो प्रकार पळोवपाचो अणभव आनी आनंद घेतलो. शिगम्याच्या दिसांनी हो उत्सव मनयतात. वर्सावळी प्रमाण अंदूय हो चोरोत्सव पारंपारीक पद्दतीन मनयलो. ह्या उत्सवा निमतान झरमें गांवांत भाविकांनी आनी नागरिकांनी खूब गर्दी केल्ली.

हे विशींची माहिती अशी : सत्तरी म्हालांत पारंपारीक उत्सव उमेदीन मनयतात. तातूंत करवल्यो, तालगडी, रणमाले, पालखी अश्या विंगडविंगड उत्सवांचो आसपाव आसता. मात सत्तरी म्हालांतल्या झरमें आनी करंझोळचो उत्सव आगळेवेगळे पद्दतीन मनयतात. अंदूय हो उत्सव पारंपारीक पद्दतीन मनयलो.

हे विशीं नागरिकांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण ही परंपरा फाटलीं शेंकड्यांनी वर्सां चालू आसा. शिगमो सुरू जातकच होळी मनयतात आनी त्याच दिसा हो चोरोत्सव अर्थात चोर उत्सव मनयतात. ह्या चोरोत्सवाचें खाशेलपण म्हणल्यार शेंकड्यांनी वर्सां सुरू आशिल्ली ही प्रथा अजून तशीच आसा.

हे विशीं मेळिल्ले माहिती प्रमाण शेंकड्यांनी वर्सा आदीं एका कुटुंबांतले स तरणाटे ह्या गांवांत आयिल्ले. तांणी वतना कांय फातर व्हेले. ह्या गांवांतल्या नागरिकांनी तांकां धरले. ते फातर चोरून व्हरताले. लोकांनी तांकां चोर समजून येथीश्ट पेटयले. तांकां बडय बडय बडयले आनी तातूंतच तांकां मरण आयलें.

मजगतीं, ह्या तरणाट्यांचो सोद घेत कांय मनीस ह्या गांवांत आयले. तांणी ही घडणूक पळयली. तांणी ते विशीं गांवकारांक जाब विचारलो. आमकां ते चोर शे दिसले म्हणून आमी तांकां येथीश्ट मारबड केली अशें गांवकारांनी तांकां सांगलें. मात ते चोर नासले. ते एका बऱ्या घराण्यांतले आसले. तें आयकून गांवांतल्या ग्रामस्थांक आपली चूक कळ्ळी. आमी तशें करूंक नाका आसलें अशें तांकां दिसलें. ते घडणुकेची याद म्हणून दर वर्सा हो चोर उत्सव मनयतात.

परंपरेचो एक व्हडलो आविश्कार म्हणून ह्या उत्सवाची वळख आसा, नामना आसा. वाळपय शारा सावन लागीं लागीं स किलोमिटर अंतराचेर आशिल्ल्या झरमें गांवांतलो हो उत्सव पळोवपाक गोंयच्या विंगडविंगड वाठारांतल्यान भावीक व्हडा प्रमाणांत येतात. हो गांव गोंय आनी महाराष्ट्र ह्या राज्यांचे शिमेर वसला. सैमाचे गिरेस्तकायेन भरिल्ल्या आनी देवाची देण लाबिल्ल्या ह्या गांवाक चोर उत्सवाक लागून वेगळेंच म्हत्व फावो जालां. लोकांक आनी भाविकांक ह्या चोरोत्सवाचें एक वेगळेंच आकर्शण जालां. शेंकड्यांनी वर्सा चलिल्ली ही परंपरा अशीच उरची म्हणून तरणाटे आपापले परीन योगदान दितात. पारंपारिकतेक कसलेच तरेची बादा येवची ना हाची जतनाय घेतात आनी हो परंपरेन चलत आयिल्लो हो उत्सव उमेदीन मनयतात.

राज्य कला प्रदर्शनांत णव कलाकार पर्जळ्ळे

कला अकादमीच्या राज्य कला प्रदर्शनाचो निकाल जाहीर

भांगरभूंय | खबरांमेज

पणजी : कला अकादमीन आयोजीत केल्ल्या ४६ व्या राज्य पांवड्या वयल्या आर्टिस्ट विभागांतल्या स्पर्धात्मक कला प्रदर्शनाचो निकाल जाहीर जाला.

पेंटिंग आनी ग्राफीक प्रिंट विभागांतल्यान स्वप्नेश वायंगणकार, वासुदेव उदय शेटये आनी आशिष उल्हास फळदेसाय हांच्या कलाकृतींक, अप्लायड आर्ट आनी ग्राफीक डिजायनांतल्यान संदेश गवंडळकार, राजाराम शिवराम नायक आनी राजतिलक नायक हांच्या कलाकृतींक जाल्यार स्कल्पचर विभागांतल्यान उमाकांत तुकाराम पोके, सागर नायक मुळे आनी प्रशांत आनंद नागेशकार हांच्या कलाकृतींक दरेकी २०,००० रुपयांचीं इनामां फावो जाल्यांत.

झिलू हरमलकार (दिवचल), विनय सायनेकर (मिरामार) आनी डॉ. शिवाजी शेट (कुमारजुवें) ह्या जाणकारांचो आसपाव आशिल्ल्या परिक्षक मंडळान राज्य कला प्रदर्शना खातीर आयिल्ल्या कलाकृतींचें समग्र मुल्यमापन करून सविस्तर निकाल दिला.

पुरस्कार जोडिल्ल्या कलाकारांचें कला अकादमीन अभिनंदन केलां. हे सर्तीच्या इनामां वांटप सुवाळ्याची तारीख रोखडीच जाहीर करतले अशें कला अकादमीन हे विशीं उजवाडायिल्ल्या पत्रकांत म्हणलां.

स्वप्नेश वायंगणकार

वासुदेव उदय शेटये

आशिष उल्हास फळदेसाय

संदेश गवंडळकार

राजाराम शिवराम नायक

राजतिलक नायक

उमाकांत तुकाराम पोके

सागर नायक मुळे

प्रशांत आनंद नागेशकार

कांदोळे फ्लॅट फोडून सुमार दोन लाखांचो म्हालवज फारायलो

भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी : कांदोळेंतल्या पिंटोवाड्या वयलो एक फ्लॅट फोडून १ लाख ९० हजार रुपया मोलाचें भांगर आनी हेर म्हालवज फारायलो. ह्या प्रकरणांत कळंगूट पुलिसां अज्ञात व्यक्ती आड गुन्यांव दाखल केल्या.

कळंगूट पुलिसांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण ह्या प्रकरणांत एंजेलो फर्नांडीस हांणी कागाळ दाखल केल्या. कांदोळेंतल्या पिंटोवाड्या वयले वसणुकेंत कागाळदाराचो फ्लॅट आसा.

तो फ्लॅट एके अज्ञात व्यक्तीन शेनवारा, १९ मार्चाक फांतोडेर ३.२० ते ५.२० मजगतीं फोडलो आनी १ लाख ९० हजार रुपया मोलाचें एक मंगळसुत्र, पांच मुदयो, तीन कानांतलीं, एक जोडी भांगरा सरपळी, एक हार आनी सॅमसंग मोबायल आनी हेर म्हालवज चोरी केल्ल्याचें कागाळेंत म्हणलां.

कळंगूट पुलीस निरिक्षक लक्षी आमोणकार हांच्या मार्गदर्शना खाला पुलीस उपनिरिक्षक विकास गावडे हांणी अज्ञात व्यक्ती आड भारतीय दंड संहितेच्या कलम ४५७ आनी ३८० अंतर्गत गुन्यांव दाखल करून तपास सुरू केला. हे घडणुकेची म्हायती मेळटकच पुलिसांनी वास घेवपी सुणीं आनी ठशे तज्ञांची मजत घेतली. ह्या प्रकरणांत पुलिसांनी वाठारांतल्यान सीसीटीव्ही फुटेजची तपासणी सुरू केल्या अशें सुत्रांनी सांगलें.

सान चलयेचेर लिंगीक अत्याचार

टँकर ड्रायव्हराक अटक

चार दिसांची पुलीस बंदखण

भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पणजी : १७ वर्सांचे सान चलयेचेर लैंगीक अत्याचार केल्ल्या प्रकरणांत पर्वरी पुलिसांनी संदीप चोडणकार (४०, कारोना-हळदोणें) ह्या टँकर ड्रायव्हराक अटक केल्या. अटक केल्ल्या दुबाविताक म्हापशेंच्या पयलो वर्ग न्यायालयान चार दिसांची पुलीस कोठडी फर्मायल्या.

पर्वरी पुलिसांनी दिल्ले माहिती प्रमाण, ह्या प्रकरणांक पिडेस्त चलयेच्या कुटुंबान कागाळ दाखल केल्ली. दुबावीत संदीप चोडणकारान १ ऑक्टोबर २०२१ ते २८ फेब्रुवारी २०२२ मजगतीं लैंगीक अत्याचार केल्ल्याचें म्हणिल्लें. तशेंच हाची वाच्यता केल्यार जिवेशीं मारपाची धमकी दिल्ल्याचें म्हणलां.

हाची दखल घेवन पर्वरी पुलीस निरिक्षक अनंत गांवकार हांच्या मार्गदर्शना खाला महिला पुलीस उपनिरिक्षक प्रणिता मांद्रेंकार हांणी दुबावीत चोडणकाराच्या आड भारतीय दंड संहितेच्या कलम ३५४ (ए), ३७६, ५०६ प्रमाण तशेंच बाल लैंगीक शोशण विरोधी कायदो २०१२ (पोक्सो) कायद्याच्या ४(८) कलमा खाला गुन्यांव दाखल करून अटक केल्या. अटक केल्ल्या दुबाविताक आयतारा म्हापशेंच्या पयलो वर्ग न्यायालयांत हाजीर केलो तेन्ना न्यायालयान ताका ४ दिसांची पुलीस कोठडी फर्मायल्या.

विज्ञान पोस्टर सर्तींत रामा गांवकार हांकां येस

सद्गुरू ब्रह्मेशानंदाचार्य स्वामीजींचे हस्तुकीं भोवमान स्विकारतना रामा गांवकार.

भांगरभूंय | खबरांमेज

पणजी : विज्ञान दिसा निमतान ताळगांवां विज्ञान प्रसारक संस्कृती मंत्रालय आनी गोंय विद्यापीठ हांच्या जोड पालवान आजादी का अमृत महोत्सवा अंतर्गत विज्ञान सर्वत्र पूज्यते हो महोत्सव घडोवन हाडिल्लो. ह्या वेळार विज्ञान पोस्टर सर्तीत इंटरनॅशनल सद्गुरू गुरुकुलम, तपोभूमी शाळेचो यत्ता आठवी यत्तेंत शिकपी रामा रुपेश गांवकार ह्या विद्यार्थ्यान तिसरें इनाम जोडलें. त्या निमतान श्री सुशेण दत्त मठ, हातुर्ली हांगा भक्ती उत्सवांत पद्मश्री सद्गुरू ब्रह्मेशानंदाचार्य स्वामी महाराजांचे हस्तुकीं रामा गांवकार हांचो भोवमान जालो.

दर्जेदार शिक्षण, संस्कार, आचारपद्दत, नीतीमूल्यां आनी संस्कृती संवर्धनाची मोख बाळगून बरें नागरिकत्व आनी पर्जळीत फुडार दिवपा खातीर सद्गुरू ब्रह्मेशानंदाचार्य स्वामी महाराजांचे प्रगल्भ संकल्पनेंतल्यान साकारिल्लें सद्गुरू गुरूकुलम् कितल्याश्याच उपक्रमांनी विद्यार्थ्यांचो सर्वांगीण विकास करता.

हे कार्यावळींत संचालक रामचंद्र नायक, रामा टेमकर, शाळेची वेवस्थापक निलीमा मांद्रेंकार, शिक्षक आनी पालक हाजीर आसलीं. श्रीराज शेलार हांणी सुत्रसंचालन केलें.

पणजी शार महापालिका
पणजी- गोंय
निविदा कळोवणी (ई- निविदा माध्यमानूच फक्त)

संदर्भ क्र. एफ 10/ सीसीपी/टेक/ निविदा/ 2021-2022/ 1389/ तारीख- 17/03/2022

पणजी- गोंय शाराच्या महापालिकेच्या आयुक्तान पणजी महापालिकेचे वतीन नोंदणीकृत पीडब्ल्यूडी कंत्राटदारां कडल्यान ऑनलायन माध्यमां वरवीं 'निविदा' मागयल्यात.

निविदा कळोवणेचे सविस्तर म्हायती खातीर आनी ई - निविदेन वांटो घेवपाक , उपकार करून https://eprocure. goa.gov.in / www.ccpgoa.com वेबसायट पळोवची. सविस्तर कळोवणी महापालिकेच्या नोटीस बोर्डाचेर लायल्या.

डीआय/एडीव्हीटी/ 1981/ 2022

मास्क घालात, सुरक्षीत अंतर दवरात, हातांची नितळाण राखात

पंजाब नैशनल बैंक .....भरोसे का प्रतीक (A GOVERNMENT OF INDIA UNDERTAKING) pnb punjab national bank ...the name you can BANK upon!

सर्कल सास्त्र नवी दिल्ली
दुसरी माळी, विक्रांत टॉवर्स, राजेंद्र प्लेस, नवी दिल्ली- 110008 ईमेल- cs4168@pnb.co.in

ई- पावणी विक्री कळोवणी

सुरक्षा व्याज (अंमलबजावणी) कायदो 2002 च्या नेम 8 (6) च्या तरतुदीं सयत अर्थीक मालमत्ता आनी अंमलबजावणीचे सुरक्षीततेकरण आनी फेररचणूक खाला स्थावर मालमत्तेचे विक्रे खातीर ई/पावणी विक्री सुचोवणी. हे सुचोवणी वरवीं लोकांक आनी खास करून रीणकार आनी जामीन राविल्ल्यांक कळीत केलां की, वर्णन केल्लें जंगम/ स्थावर तारण/ शुल्क सुरक्षीत रीणकाराक दिलां, जाचो रचनात्मक वा भौतिक/ प्रतिकात्मक ताबो जो बँकेच्या अधिकृत अधिकारी/ सुरक्षीत रीणकारान घेतला, तो सकयल दिल्ल्या तारखांक "**जसो आसा थंय, "जसें आसा तशेंच जें कितें आसा"** तशें विकतले, कारण संबंधीत रिणकार आनी जामीनदारां कडल्यान बँक / सुरक्षीत रिणकाराक थकबाकी वसूल करपाक जाय. भौतीक ताबो प्रकरणांत अधिकृत अधिकाऱ्यांक 24 वरां पूर्वसुचोवणी दिवन संबंदीत मालमत्तेक **04.04.2022** दिसा दनपरां 3:00 ते 4:00 मेरेन भेट दिवपाक मेळटली. प्रतिकात्मक ताब्या खातीर बोलीदारान स्वता भेटीची वेवस्था करची.

स्थावर मालमत्तांचे विक्रे खातीर विक्री सुचोवणी

अनु. क्र.	फांट्याचें नांव / खात्याचें नांव / रिणकार/जामीनदाराच्या खात्याचें नांव आनी पत्तो	खात्याचें नांव	फांट्याचें नांव	डिमांड नोटीस यू/एस 13 (2) एसएआरएफएईएसआय कायदो 2002 खाला ची तारीख / डिमांड नोटिशी प्रमाण रक्कम / ताब्याची तारीख, यू/एस 13 (4) एसएआरएफएईएसआय कायदो 2002 खाला / प्रतिकात्मक /भौतिक/रचनात्मक	स्थावर मालमत्ता जी मॉर्टगेज केल्या तिचें वर्णन/ धनयाचें नांव (मालमत्ता वा मालमत्तांचें मॉर्टगेज करपी)	आरक्षीत मोल (रुपया लाखांत) / ईएमडी / (निमाणी तारीख डिपोझिट इएमडीची) / बोलीची वाढीव रक्कम	तारीख / वेळ इ- पावणेचो	सुरक्षित रीणकाराक खबर आशिल्ल्या भारांचो तपशील	अधिकृत अधिकाऱ्याचें नांव आनी संपर्क क्रमांक
1.	सर्कल सास्त्र नवी दिल्ली / प्रिसियेस हॉस्पिटेलिटी अँड लेशर प्रा. लिमीटेड	प्रिसियेस हॉस्पिटेलिटी अँड लेशर प्रा. लिमीटेड	एमसीबी, नवी दिल्ली	08.05.2015 / रु. 535.51 लाख / 13.05.2016 / भौतिक	प्लॉट जाचो चालता क्र. 18 आनी 24 जो पीटी शीट 43 मदीं आसा. मुंडवेल हांगां झुआरी न्हंये कडेन गोवा शिपयार्ड, वास्को गोंय वाठार 2505 चौ. मि.	रु. 306.00 लाख / इएमडी – रु. 30.60 लाख / इएमडीची तारीख - 04.04.2022 / रु. 50,000/-	**08.04.2022** सकाळीं 11:00 am ते दनपरां 02:00	खबर ना	पवन कुमार मो. 9873344532

अटी आनी शर्ती :

विक्री ही सुरक्षा हित (अंमलबजावणी) नेम 2002 त नमूद केल्ल्यो अटी आनी शर्तींचेर आनी फुडल्या अटीं प्रमाण आसतलें.

1. पावणी विक्री "ई- पावणे वरवीं ऑनलाइन" जातली. पोर्टल http://www.mstcecommerce.com/ आसतलो.
2. इत्सुक इच्छुक बोलीदार/ खरेदीदारांक पोर्टलचेर (https:www.mstcauction.com) तांचो मोबायल क्रमांक आनी ईमेल-आयडी वापरून नोंदणी करपाची विनवणी केल्या. मुखार तांकां गरजेचीं केव्हासी कागदां अपलोड करपाची विनवणी. केवायसी दस्तऐवजांची ई-लिलाव सेवा प्रदात्याद्वारे पडताळणी केले उपरांत (2 कामकाजाचे दीस लागूं शकतात), इत्सुक बोलीदार /खरेदीदारांनी ई-लिलाव तारखे पयलीं **04.04.2022** मेरेन ऑनलाइन माध्यम वापरून ईएमडी रक्कम हस्तांतरित करची पडटली आनी पोर्टलांत वेळ. पावणे पयलीं नोंदणी, केव्हायसी कागदपत्रांची पडताळणी आनी वॉलेटांत ईएमडी हस्तांतरित करप पयलींच पुराय करप गरजेचें आसा.
3. वर नमूद केल्ले प्रमाण अर्नेस्ट मनी डिपॉझिट (EMD) रक्कम 3 माध्यमां वरवीं ऑनलायन भरची पडटली. म्हणजेच NEFT/ रोख/ हस्तांतरण (https:www.mstcecommerce.com) वयल्यान चालान तयार केले उपरांत बोलीदाराच्या ग्लोबल इएमडी वॉलेटांत ते भरचे पडटले. ई- निफ्ट हस्तांतरण खंयचेय शेड्यूल्ड कमर्शियल बँकेतल्यान करपाक मेळटा, पूण रोख/हस्तांतरणा खातीर बोलीदाराक पंजाब नॅशनल बँकेच्या शाखेत वचें पडटलें. चॅका सारक्या हेर खंयच्याय माध्यमा वरवीं ईएमडीचे पेमेंट स्विकारचे नात. गरजेचे ईएमडी ऑनलायन जमा करिनात त्या बोलीदाराकं ई- पावणेंत वांटो घेवपाक परवानगी दिवचे नात. जमा केल्ल्या बयाणा रकमेचेर कसलेंच व्याज आसचें ना.
4. ई- पावणे खातीर प्लॅटफॉर्म (https:www.mstcecommerce.com) ई-ऑक्शन सेवा प्रदाता M/s MSTC लिमिटेड वरवीं दितले, जाचें नोंदणीकृत कार्यालय 225-C, A. J. C. बोस रोड, कोलकाता- 700020 (फोन आनी टोल फ्री क्रमांक 079-41072412/ 411/ 413 वा 1800-103-5342 चेर संपर्क करचो). इत्सक बोलीदार/खरेदीदारांनी ई- पावणी सेवा प्रदात्याच्या https:www.mstcecommerce.com ह्या वेबसाइटीचेर ई- पावणी प्रक्रियेत वांटो घेवप गरजेचें आसा. हो सेवा प्रदाता पोर्टलाचेर ई- पावणेचें प्रात्यक्षिक/प्रशिक्षणूय दितलो..
5. विक्रीच्यो सामान्य अटी आनी शर्ती आशिल्ली विक्री सुचोवणी फुडल्या वेबसाइट्स/ वेबपेज पोर्टलाचेर उपलब्ध/प्रकाशित केल्या.
   ए) https://www.ibapi.in, बी) https://eprocure.gov.in/epublish/app, सी) http://www.mstcecommerce.com/., डी)www.pnbindia.in,
6. ई-पावणेंत वांटो घेवपी इत्सुकांनी विक्री नोटिशेच्यो प्रती, ई-पावणेचे नेम आनी अटी, ई-पावणे कडेन संबंदीत ई-पावणेच्या ऑपरेशनल भागाचो हेल्प मॅन्युअल मुफत मेळोवपा खातीर e-B;-IBAPI पोर्टलांतल्यान (https://www.ibapi.in) डावनलोड करचें.
7. इत्सूक बोलीदारांनी/खरेदीदारांनी आपलो मोबायल नंबर आनी ईमेल-आयडी वापरून पोर्टलाचेर (https:www.mstcauction.com) नोंदणी करची. उपरांत तांणी फावो तीं केव्हायसी कागदपत्रां डावनलोड करचीं. बाय-ऑक्शन सर्विस प्रोव्हायडरान केव्हायसी कागदपत्रां तपासलीं (ताका दोन दीस लागुं येतात) की इत्सूक बोलीदारान/खरेदीदारान आपल्या ग्लोबल ईएमडी वॉलेटांतल्यान ऑनलायन पद्दतीन ईएमडी रक्कम धाडची. वॉलेटांत फावो ती ईएमडी आसल्यारूच इत्सूक बोलीदाराक ई-पावणेचे तारखेक बोली करप शक्य जातलें.
8. बोलीच्या वेळार बोलीदाराच्या ग्लोबल वॉलेटांत फावो ती रक्कम (>=EMD amount) आसूंक जाय.
9. ई-पावणे वेळार बोलीदाराक नमूद केल्ले निमाणे बोली परस चड आनी इंटर-से बिडिंगा परस चड बोली करपाक मेकळीक आसतली आनी बोलीदाराचे निमाणे चड बोली परस बोलीची उणीच रक्कम ५०,००० आसूंक जाय. येसस्वी चड बोली नमूद करपाक बोलीदाराक धा मिणटांचो वेळ दितले. निमणी चडांतचड बोली लायले उपरांत धा मिणटांचो वेळ सोंपतकच खंयच्याय बोलीदारान चड बोली लावूंक ना जाल्यार ई-पावणी बंद जातली.
10. विक्री नोटीस, ई-पावणेचे नेम आनी अटी, ई-पावणेच्या ऑपरेशन भागाचो हेल्प मॅन्युअल योग्य तरेन वाचप आनी ती खरपणान पाळप ही इत्सूक बोलीदाराची जापसालदारकी आसतली.
11. ई-पावणे वेळार वा आदीं कसलीय अडचण वा आदाराची गरज उप्रासल्यार आमच्या ई-ऑक्शन सर्विस प्रोव्हायडराच्या अधिकृत प्रतिनिधी कडेन (https:htpp://www.mstcecommerce.com) संपर्क सादुंयेता. हे विशींची पुराय माहिती ई-ऑक्शन पॉर्टलाचेर उपलब्ध आसा.
11. अधिकृत अधिकाऱ्यान ई-पावणी निश्चीत करतकच फकत येसस्वी बोलिदाराक आमचो वयर नमूद केल्लो सर्विस प्रोव्हायडर एसएमएस/ईमेला वरवीं कळयतलो. (सर्विस प्रोव्हायडराक जो मोबायल नंबर/ईमेल नामो दिला/नोंद केला ताचेर)
12. आरक्षीत मोला परस उण्या मोलान सुरक्षीत आस्पत विकचे नात.
13. बँकेक येसस्वी बोलीदाराची विक्री रक्कम आयकर कायदो १९६१ च्या कलम १९४-१ खाला टीडीएसाक धरून आसतली आनी बोली रक्कम/ बोली रकमेचे पुराय देवेची उरिल्ली ७५ टक्के ठेव दिवपाच्या वेळार येसस्वी बोलीदाराक टीडीएस भरचो पडटलो.
14. कसलेंच कारण दिनासतना स्विकारपा सारकी दिसना ती बोली वा खंयचीय वा सगल्यो बोली स्विकारपाचो वा न्हयकारपाचो तशेंच फुडें धुकलपाचो/रद्द करपाचो/स्थगीत करपाचो/बंद करपाचो वा खंयच्याय वेळार पावणेचे नेम बदलपाचो अधिकार अधिकृत अधिकाऱ्यान राखून दवरला.
15. कायद्यांत आशिल्ल्या तरतुदीं प्रमाण पुराय बोलीचे रकमेचे ठेवीचेर येसस्वी बोलीदाराच्या नांवान विक्री प्रमाणपत्र काडटले.
16. **खंय आसा तशें** आनी **कशें आसा तशें** आनी **आसा ते स्थितींत** मालमत्ता विकतले.
17. कार्यावळींत नमूद केल्ले सुरक्षीत मालमत्तेचे नग अधिकृत अधिकाऱ्यांचें समाधान करपी नासत तर जाहीरनाम्यांतले खंयचेय चुकेक, चुकीचे माहितेक वा कितेंय कडेक काडल्यार ताका जाप दिवपाक अधिकृत अधिकारी बंधनकारक आसचो ना.
18. बोली सादर करचे आदीं मालमत्ते विशीं आनी पुराय माहिती विशीं परत एक खेप नियाळ घेवपाची वा आपलें समाधान करून घेवपाची जापसालदारकी बोलीदाराची आसतली. दिल्ले माहिती प्रमाण विक्रेच्या अधिकाऱ्यां कडेन भासाभास करून बोलीदारान मालमत्तेची पळोवणी करची.
19. सगली स्टेट्युटरी थकबाकी/अँटेंडंट शुल्क/हेर रक्कम तशेंच नोंदणी शुल्क, स्टॅम्प ड्युटी, कर आदी खरेदीदारान भरचे पडटले.
20. सरकाराक व बँकेक खबर ना ते मालमत्ते विशीं (ई-पावणी केल्ली) दिवपाची आशिल्ली कसलीय हेर धकबाकी, कसलेय शुल्क, तारण, अर्थीक भार दिवपाक अधिकृत अधिकारी वा बँक जापसालदार आसची ना. स्टेट्युटरी लायबिलीटीस, प्रोपर्टी टॅक्साची थकबाकी, विजेची थकबाकी आदी सयत मालमत्ते वयल्या भागा विशीं इत्सूक बोलीदारान आपली स्वताची स्वतंत्र चवकशी करची अशें सुचयलां.
21. बोलीदारान इंटरनेट कनेक्टीव्हीटी, पावर बॅक-अप आदी योग्य आसा काय ना हाची खात्री करची पडटली. ई-पावणेक बादा हाडपी कसलींच कारणां/निमतां वा तंत्रीक कारणां वा वीज खंडीत जावप, इंटरनेट बंद जावप असलीं कारणां बँकेक लागचीं नात.
22. पावणेंत वांटो घेवपा खातीर प्रतिनिधी नेमप आनी स्वतंत्र बोली लावपाक बँकेक मेकळीक आसतली.

विक्रेच्या नेम आनी अटी खातीर उपकार करून **https://www.ibapi.in, http://eprocure.gov.in/epublish/app, http://www.mstcecommerce.com/, www.pnbindia.in** पळोवचें.

एसएआरएफएईएसआय कायदो, २००२ च्या ८(६) नेमा खाला स्टेट्युटरी विक्री नोटीस

ता: १९.३.२०२२. सुवात : नवी दिल्ली | **अधिकृत अधिकारी, पंजाब नॅशनल बँक**

संपादकीय

लायटीची गाडी

उदरगतीच्या मळार आमी मुखार धांवतात, तातूंत गाडयांचें खूब व्हड योगदान आसा. एका तेंपार बैलगाडी, घोड्याचो टांगो वापरताले. मागीर सायकल, इंधनाचेर चलपी दुचाकी, रिक्षा, मोटार, बस आयली. आगगाडी, विमानां, बोटूय आसली. येरादारी वेवसायीक सोडल्यार पयलीं वाहनां गिरेस्तांगेरूच आशिल्लीं. मात बदलत्या काळा प्रमाण सगलेंच बदल्लें. गोंया पुरतो विचार केल्यार, फाटल्या 25 वर्सांच्या काळांत घराघरांनी गाडयो जाल्यात. लोकसंख्या 15 लाख आनी वाहनांय तितलींच. भोवतेक गाडयो पॅत्रॉल, डिझेलाचेर चलपी. मात वाडटे म्हारगायेक लागून त्यो वापरप परवडना जालां. कारण इंधन 100 रुपया लिटर जालां. यो-वच करपाक दिसाक 100 ते 400 रुपया जायच. इंधन परवडना, पर्यावरण इबाडटा अशा कारणांक लागून आतां लोक इलेक्ट्रीक गाडयां कडेन वळपाक लागल्यात. गोंयूय ताका आडवाद ना.

तीन वर्सांच्या काळांत गोंयांत इलेक्ट्रीक गाडयांचीं नोंदणी वाडल्या. 2019 त फक्त 41 गाडयो नोंद जाल्ल्यो. पोरूं 1095. अंदूं उण्योच दोनेक हजार गाडयो खपतल्यो, अशी सरकाराक आस्त आसा. ह्या नव्या युगाच्या वाहनांक उर्बा दिवपाक खाशेले यत्न करपाचें केंद्र सरकारान थारायलां. देशाची आंकडेवारी पळयल्यार, 2019 त 1 लाख 64 हजार 852 इलेक्ट्रीक वाहनां खपिल्लीं. 2021 त 3 लाख 29 हजार 190. पॅत्रॉल, डिझेलाच्या गाडयांचे तुळेन (1 कोटी 83 लाख 12 हजार) हो आंकडो खूबच उणो आसलो तरी येवपी काळांत तो वाडटलो. ह्या इलेक्ट्रीक गाडयांचें मोल उणें करपाचे यत्न चल्ल्यात. जीएसटी 12 टक्क्यां वयल्यान पांचाचेर हाडला. चार्जिंगाचेर 18 टक्के जीएसटी आशिल्लो, तोवूय पांचाचेर व्हेला. बॅटरेचें मोल उणे करपाक येवजण आंखल्या, राज्यांक रोड टॅक्स घेवचो न्हय, अशें सांगलां. देखून इलेक्ट्रीक गाडयेचें मोल देंवतलें आनी ताची लोकप्रियताय वाडटली, हें शेर्त. पांच वर्सांचो काळ धरलो, जाल्यार कितली वीज लागता, देखरेखीचेर कितलो खर्च येता, बॅटरी कितले फावटी बदलची पडटा, गाडयेचें दुरुस्तीचें मोल कितलें... बारीकसारीक सगल्या प्रस्नांच्यो जापो मेळनात, तो मेरेन तिचे विक्रेचो वेग वाडचो ना. आसली ती पॅत्रॉलाची गाडीच बरी आसली, ही भावना उपरांत एकाय गिरायकाक आफडूंक जायना, हे खातीर सरकारान दुरदिश्टीन एक- एक पावल मुखार घालचें पडटलें. इलेक्ट्रीक दुचाकींचें मार्केट देशांत हेर दुचाकींचे तुळेन 1 टक्के आसा. पूण, 2025 मेरेन तें उणेंच 15 टक्क्यांचेर पावतलें, असो अदमास तज्ञांनी उक्तायला. ते दृश्टीन नेटाची तयारी ही करचीच पडटली.

इंधनाचो वापर उणो जालो, तरी वाहनांक लागपी वीज खंयच्यान तयार करतले, होवूय प्रस्न आसाच. सगले प्रस्न, समस्या पयस जातल्यो, तेन्नाच...

विदेशांत इलेक्ट्रीक हायवे आसात. ताचे वयल्यान गाडी गेली काय ती आपशीच चार्ज जाता. तसलो पयलो म्हामार्ग दिल्ली ते जयपूर मजगतीं बांदपाचो सरकाराचो हावेस आसा. केंद्रीय येरादारी मंत्री नितीन गडकरी हांचें तें सपन. अंदूं अर्थसंकल्पांत रस्तो येरादारी मंत्रालयाक दोन लाख कोटी दवरल्यात. इलेक्ट्रीक हायवे तसो खर्चीक, पूण रस्त्यांची दुरुस्ती जावप ताचे परस म्हत्वाचें. कारण वाहनांक चड इंधन लागपा फाटलें (इलेक्ट्रीक गाडयांक चड वीज) हें एक म्हत्वाचें कारण. बांदकाम खात्यांत हिस्पा भायर भ्रश्टाचार चलता, देखून आमच्या गोंयांत पसून इबाडिल्ल्या रस्त्यांक दर वर्सा डांबर घालचें पडटा. रस्ते सुदारत जाल्यार सगल्याच तरेच्या गाडयांक बऱ्याक पडटलें. अपघातूय उणे जातले.

इलेक्ट्रीक गाडयो घरा कडेन चार्ज करपाक मेळटात. तरीय दरेका पॅत्रॉल पंपाचेर सवाय भितर चार्जिंगाची वेवस्था जावप गरजेचें. तशेंच गाडयांची मायलेज वाडप म्हत्वाचें. कारण आयज गोंयकार दिसाक येवन- वचून उणोच 40 ते 100 किलोमिटर प्रवास करतात. चार चाकी गाडयो घेवन लोक दुसऱ्या राज्यांनीय वतात. उत्पादकांक आनी सरकाराकूय इलेक्ट्रीक गाडयो ह्या प्रवासाक बऱ्याक पडटल्यो, हो विस्वास वाहन गिरायकाक दिवचो पडटलो. इंधन दिसानदीस म्हारग जायत आसा. ताचे आयातीचेर अब्जांनी रुपया सरकाराक खर्च करचो पडटा. इंधनाचो वापर उणो जालो, तरी वाहनांक लागपी वीज खंयच्यान तयार करतले, होवूय प्रस्न आसाच. सगले प्रस्न, समस्या पयस जातल्यो, तेन्नाच ही लायटीची गाडी चड नेटान धांवक लागतली.

हांतरी

आयलो वसंत

कुलकुल्याच्या शिंयान केन्ना पपा काडली, कोणाकूच कळ्ळें ना. आतां गर्मेन आपलें रुप दाखोवपाक सुरवात केल्या. घामाच्यो पावळ्यो व्हांवपाक लागल्यात. ताळो सुकपाक लागला. गर्मी म्हणल्यार तकलीफोडूच. जीव सामको खासावीस करता. पूण, गर्मेच्या ह्याच दिसांनी वसंत उत्सव सुरू जाला. आयलो वसंत, एक उमेद घेवन. झाडां-पेडां, सावदां-सुकणीं सगल्यांचेरूच ताचो परिणाम जाला. झाडांचेर कचकचीत पाचवे आकूर फुटल्यात. पोरणीं पानां झडून तांचो जागो नव्या पानांनी घेतला. पणस, तोरां झाडांचेर धोलूंक लागल्यांत. आंबेय आयल्यात. मात तांचें मोल हाता भायलें.

वसंत ऋतू सगल्यांचो लाडको. तो येता, ताची सुलूस सगल्यांत पयलीं लागता ती कोगुळाक. तो आपल्या म्होंवाळ आवाजान ताका येवकार दिला. फांतोडेर उजवाडलें काय हाथरुणार आसतनाच ताचो कुहू कुहू आवाज आयकूंक येता. मन प्रसन्न जाता, त्या सर्गीय आवाजान.

वसंत ऋतूच्या आगमनान फळांचे दीस सुरू जाता. पणस, आंबे... तांचो जिबेक उदक हाडपी वास. केन्ना एकदां ते झाडा वयल्यान देंवतात, पिकतात आनी आमच्या पोटांत गडप जातात, ताची उमळशीक दरेकल्याक आसता. तातूंत गोंयचो मानकुराद आंबो तर फळांचो राजा. ताची रुच... उतरांनी वर्णन करूंक जावचें ना. झाडपिको आंबो आसल्यार मागीर विचारूंच नाकात. ह्या दिसांनी रानमेवो पिकता. काण्णां, चुन्नां, जांबळां, जांब, भिड्डां, चाफरां... सैमाची ही देणगी. आयचे पिळगेक हो रानमेवो बाजारांतल्यान विकत हाडून खांवचो पडटा. एका काळार सगलेच लोक रानांनी वचून तो हाडटाले. हरवो रानमेवो आनी पिकिल्लो. खळाक घालपाक काण्णां, लोणचें करपाक, पिकिल्लीं खावपाक. जांबळां भलायकेक सामकीं बरीं. हो रानमेवो खावपा सारकें सूख ना.

वसंत गर्मी हाडटा, तरी सगलो सैम नट्टा. मनाक, दोळ्यांक थाकाय दिता. सगल्या वातावरणांत उत्साह हाडपी, प्रफुल्लीत करपी सर्गीय सूख म्हणल्यार, वसंताचें आगमन. ताका येवकारुया.

सिद्धी तिळवे
7972535321

ई - शिक्षण मुखार व्हरपा खातीर

होमखण

मुकेश थळी
फोंडें

काळा प्रमाण माथ्याक कुरपणें अशें म्हणटात. काळा प्रमाण कांय गजाली आपणावच्योच पडटात. भिके दुवाळे म्हूण कांय जाणांनी बकच्छायो मारूं. म्हातारेल्या पोराक पोंबुर्फेंचें फेस्त सांगलां कोणें? अशीय एक ओपार घोळटा... सद्या विज्ञानाच्या युगांत परिस्थिती अशी जाल्या, म्हातारेल्या आनी सगळ्यांच्याच पोरांक सगलीं फेस्तां जाय पडटलीं.

कोवीड आयलो. हादरली धर्तरी. शिक्षणाचें कितें जातलें हो हुस्को. उदकांत पडलों आनी पेवंक शिकलों तशें सगल्यांचें जालें. गत्यंतर नाशिल्लें. ऑनलायन प्रकरण सुरू जालें. कोणाक रेंज मेळना. गरिबां कडेन मोबायल ना... समस्यांच्यो राशी. पूण उपाय नाशिल्ले. कितल्याशाच सुवातांनी अजूनय इंटरनॅटाची गती जोडणी फावो तशी ना. गोंया सयत हेर कांय राज्यांनी हें प्रमाण कशें आसा ताची आंकडेवारी हालींच आयल्या. ती सुदारपाचे यत्न जावंक जाय.

संथ इंटरनॅट गतीची समस्या भारताक पिडत आसा. 134 देशांचे वळेरेंत भारत 129व्या क्रमांकाचेर आसा. जो क्रमांक शेजारी पाकिस्तान, श्रीलंकेच्याय फार्टी आसा. कोरोनाच्या काळांत ह्या संदर्भांत सुदारणा नेटान जातना दिसताली. पूण देशांतल्या अडेज लाख पंचायती आनी साडेस लाख गावांनी 100 टक्के इंटरनॅट पावोवपा खातीर नेटाची धडपड सुरू आसा. तें करचेंच पडटलें.

शिक्षणाचो पयलो हेत म्हळ्यार तें चड विद्यार्थी-केंद्रीत, आनंददायी, प्रयोगशील जावंक जाय. दरेका शिक्षणीक धोरणांत आनी दरेका तरेच्या अभ्यासक्रमांत हें कमी-चड प्रमाणांत दिसून आयलां. पूण शिक्षण आनी अध्यापन पद्धती विर्शी विचित्र विरोधाभास उप्रासल्यात. आदर्श आनी दर्जेदार शिक्षण वेवस्थेंत खंयचे घटक आसचे, हेविर्शी निश्चीत कल्पना ना ही खंतीची गजाल. हाचो परिणाम- दरेक नवी पिळगी हे अनिश्चिततेची ख्यास्त कमी-अदीक प्रमाणांत भोगता. आतां फाटल्या दोन वर्सां सावन कोवीड-19 च्या ह्या युगांत ऑनलायन शिक्षण सध्याचे पिळगेक नवो धडो शिकयता. जंय शिक्षण हो नवो संघर्श आसा. कोविडाचो सगल्यांत व्हडलो फटको शिक्षणाच्या मळाक बसला. बुन्यादी मळ हें. ताचे पयसुल्ले परिणाम आनीक कांय वर्सांनी आनिकूय ठळकपणान दिसून येतलें.

सध्याच्या संवसारीक म्हामारींत, डिजीटल प्रणालीन धोरण-निर्माते, प्रशासन आनी समाज हांच्यांतलो संवाद, फुडारपण आनी समन्वयाचो एक गरजेचो घटक म्हूण मध्यवर्ती भुमिका आपणायल्या. मजगतीं, शिक्षण मंत्रालयाक पालकां कडल्यान कागाळी आयल्यो. जातूंत भुरग्यांक शाळेंत वरांची वरां ऑनलायन शिकयतात, गृहपाठाचें प्रमाण सांबाळटात, ताका लागून दिसूयभर भुरगीं संगणक, लॅपटॉप आणि मोबायलाक दसून उरतात. ह्या व्यग्र कार्यावळीक लागून वागण्यांत बदल जावप स्वाभावीक. मानसीक समस्याय उप्रासतात. भुरग्यां भितर पिरंगण, वाजेवणी वृत्ती येवपाक लागता. म्हामारीच्या काळांत शिक्षण हाताळपा खातीर ई-लर्निंग हो एक म्हत्वाचो पर्याय मुखार आयलो हें खरें.

कोणाच्याय धर्मान जायना, उजवाडलें एकदांचें. डिजीटल तंत्रज्ञानाच्या उदयाक लागून फुडारांतल्या विद्यापिठां खातीर नवो दृश्टीकोन आपणावपाची संद मेळ्ळी. भारत सरकारान 2022-23 ह्या अर्थीक वर्साच्या अर्थसंकल्पांत डिजीटल विद्यापीठ सुरू करपाची घोशणा केली.

ई-शिक्षणाच्या माध्यमांतल्यान सगल्यांक संदी मेळ्ळी काय कितें हो विचार करिसारको प्रस्न. डिजीटल इंडिया 2015 वर्सा दिसली तरी ताची बुन्याद दसकां आदीं घाल्ली. भारत सरकारान 1970 त इलेक्ट्रॉनिक्स विभाग आनी 1977 वर्सा राष्ट्रीय म्हायती केंद्राची स्थापना केली तेन्नाच ताची बुन्याद पडिल्ली. 2006 वर्सा राष्ट्रीय ई-गव्हर्नन्स योजना आयली. कार्यक्षमता, पारदर्शकता आनी जापसालदारकी हांची तेवरवीं खात्री झाली.

सायकलीच्या कादयेक पेंसां आसतात. शिक्षण हें सगल्या प्रक्रियांचें एक मुखेल पेंस. हें पेंस कोरोनाच्या काळांत मळबाची पापी घेवपा खातीर हपापिल्लें. पूण झोंपय पुराय जालिना. डिजिटायझेशन हेंवूय ई-शिक्षणाचें एक बरें साधन. सध्या ई-गव्हर्नन्स नवें मोडण घेता. उदरगतीचें आंगण आतां डिजीटल जालां, पूण 136 कोटी लोकसंख्या आशिल्ल्या भारतांत इंटरनॅटाचो आंवाठ अजुनूय पुरायेन ना. हें शिवधनुश्या सारकें आव्हान पेलपाक जाय.

डिजीटल इंडिया 2015 वर्सा दिसली तरी ताची बुन्याद दसकां आदीं घाल्ली. भारत सरकारान 1970 त इलेक्ट्रॉनिक्स विभाग आनी 1977 वर्सा राष्ट्रीय म्हायती केंद्राची स्थापना केली तेन्नाच ताची बुन्याद पडिल्ली.

राष्ट्रीय नमुनो सर्वेक्षणान आंकडे दिल्ले. 2017-18 ह्या वर्सा खातीर फक्त 42 टक्के शारी आनी 15 टक्के ग्रामीण कुटुंबां कडेन इंटरनॅटाचो वापर आशिल्लो. सध्या, शारी लोकसंख्येच्या 60 टक्के आनी ग्रामीण लोकसंख्येच्या फक्त 31 टक्के लोकां कडेन इंटरनॅटाचो वापर आसा. इंटरनॅट आनी मोबायल असोसिएशन ऑफ इंडियाच्या मता प्रमाण, 2020 मेरेन देशांतल्या इंटरनॅट वापरकर्त्यांची संख्या सुमार तीन दशलक्ष आशिल्ली. 2025 मेरेन तो 90 कोटींचो आंकडा हुपतलो अशी आस्त आसा. इंटरनॅट स्पीड कमी जाता ही समस्या भारतभरांत आसा. तातूंत सुदारणा जावंक जाय.

इंटरनॅट तळागाळांतल्या वाठारांनी आनी खांचीकोंयड्यांनी पावपाची गरज आसा. कांय वाठारांनी विद्यार्थी ई-शिक्षणा सावन वंचीत उरल्यात हें स्पश्ट जालां. केंद्र, राज्य, डीम्ड म्हळ्यार अभिमत आनी खाजगी अशा सगल्या प्रकारां सयत देशांत हजारा परस चड विद्यापिठां आसात अशें एका सर्वेक्षणांत दिसून आयलां. खेरीज चाळीस हजारां परस चड म्हाविद्यालयां आसात. तातूंतल्यान दर वर्सा सुमार चार कोटी विद्यार्थी पदवी घेतात.

डिजिटायझेशन कितलेंय आयस पयस शेकानशेक पातळ्ळें तरी ताचो लाव निमाण्या मनशा मेरेन पावतलो तेन्नाच येस मेळटलें. डिजिटल इंडिया, ई-लर्निंगा खातीर कोट्यांनी रुपयांची तजवीज केल्या. फाटल्या दोन वर्सांत शिक्षण मळाक जे तरेन संघर्शाक फुडो करचो पडला, ताचे वयल्यान डिजीटल उड्डाण ही काळाची पयली गरज आशिल्ल्याचें स्पश्ट जालां.

'डिजीटल एज्युकेशन फॉर ऑल' ही मोख साध्य करपा खातीर यत्न वाडोवंक जाय. डिजीटल शिक्षणा कडेन संबंदीत मुळाव्यो सुविधा विकसीत करप हें पयलें पावल. तेचप्रमाण डिजीटल साक्षरतेचे दिशेन नेटान पावलां घालूंक जाय. ई-शिक्षण सध्या बाळकाचे अवस्थेंत आसा. ई-लर्निंगाक चालना दिवपा खातीर वेव्हारीक पांवड्यार खूब कितें करपा सारकें आसा. करचेंच पडटलें. वान्सा आसल्यार कितेंय शक्य आसा.

होमिओपॅथीक करियर

सालांत

प्रा रामदास केळकार
9822583275

जायत्या विज्ञान फांट्याच्या विद्यार्थ्यांक वैजकी फांट्याचें आकर्शण आसता. ह्या अभ्यासक्रमाच्या म्हाविद्यालयांत प्रवेश घेवपाक तुमकां नीट ही देशभरच्या विद्यार्थ्यां वांगडा परिक्षा दिवची पडटा. ही तशी कठीण आसता. खेरीज लाखांनी विद्यार्थी ते परिक्षेक बसतात. हातूंत पास जातल्या विद्यार्थ्यांक तांणी मेळयिल्ल्या गुणा प्रमाण म्हाविद्यालयांत प्रवेश मेळटा. पूण फक्त 90 हजार सीट आशिल्ल्या कारणान ते सीट खूबशा जाणांक मेळनात. मागीर ते खाजगी म्हाविद्यालयांनी चड पयशे दिवन प्रवेश घेतात. तशेंच वैजकी शिक्षण दिवपी म्हाविद्यालां देशां भितर 605 इतलीं आसात. जी इत्सूक उमेदवारांक उणी पडटात. कांय जाण विदेशांत वतात. हें सगलें युक्रेन झुजाक लागून सगल्यांक समजलें. विदेशांतली शिक्षण फी हांगासरल्या खाजगी म्हाविद्यालयां परस उणी आसता. हें सगलें आकर्शण एलोपॅथीक डॉकटर जावपा खातीर आसता. पूण आमच्या गोंयांतूय शिकपाचो पर्याय आसा. एक आसा आयुर्वेदीक जाची म्हायती आमी दिली आनी दुसरो पर्याय आसा होमिओपॅथीक. ही दोनूय म्हाविद्यालयां बोरी शिरोड्यां आसात.

सगल्यांक खबर आसतलें की होमिओपॅथीक उपचार पद्दती जर्मन देशांत जल्माक आयली. 1790 वर्सा डॉ सॅम्युएल हानेमन ह्या एलोपॅथीक दोतोरान ती सोदून काडली. डॉ सॅम्युएल हांणी एर्लागेन विद्यापिठांतल्यान एमडी केल्ली तांकां वट्ट चौदा भासो येत्यालो. ह्या उपचार पद्दतीक 1812 वर्सा मान्यताय मेळ्ळी. हे पद्दतीचो पयलो प्रसार ऑस्ट्रिया, हंगेरी हांगा जालो. जाल्यार भारतांत बंगालांत जालो. एका श्रीमंत राजाक उपचार करपाक ही पद्दत आमच्या देशांत आयली. थंय 1851 वर्सा फुकट क्लिनीक सुरू जालें. पयले मॅडीकल स्कूल थंयच सुरू जालें. महाराष्ट्रांत ही पद्दत हाडपाचो मान शाहू महाराज हांकां वता.

ह्या उपचार पद्दतीन दुर्येंस मुळांतल्यान पयस करपाची शक्यताय आसता. हीं वखदां सवाय आसतात हाका लागून ग्रामीण वाठारांत हाका वाडटी मागणी आसा. तुमकां जर ह्या फांट्याचे दोतोर जावपाक जाय जाल्यार विज्ञान फांट्यांत तुमी प्रवेश घेवपाक जाय. तशेंच पीसीबी म्हळ्यार फिजिक्स, कॅमेस्ट्री आनी बायलोजी हो गट तुमी घेवचो पडटा. बारवेक 50% गूण मेळयले उपरांत नॅशनल एलिजिबिलिटी इंटर्न्स टॅस्ट म्हळ्यार नीट परिक्षा दिवची पडटा जी अनिवार्य आसा. शिरोडेंच्या म्हाविद्यालयांत साडे चार वर्सां शिकप आनी मागीर एक वर्साची इंटर्नशीप तुमकां करची पडटा. मागीर तुमकां पदवी मेळटा (बीएचएमएस बॅचलर ऑफ होमिओपेथीक मेडिसीन आनी सर्जरी) ह्या फांट्याचो उपचार सुरक्षीत असो मानतात खेरीज हाका सायड परिणाम ना म्हूण दुर्येंती व्हड संख्येन येवंक शकता.

केंद्रांत भाजप सरकार आयले उपरांत आरोग्य सेवेचे दोन फांटे सुरू जाले. एक म्हळ्यार आयुष आनी दुसरो म्हळ्यार हेल्थ मिनिस्ट्री आयुर्वेद तशेंच होमिओपॅथीक फांट्याक बरे दीस येतले अशें म्हणपाक हरकत ना. कोरोना काळांत ह्या फांट्याचे आर्सेनीक अलबम हें वखद बोरो परिणाम करूंक शकलें. ही पदवी घेतले उपरांत तुमी देशांत तशेंच विदेशांत उत्पादन संशोधन फांट्यांत लेगीत काम करूंक शकतात. तुमी स्वताचे क्लिनीक सुरू करून सेवा दिवंक शकतात. अजुनूय खेड्यांनी दोतोरांची गरज आसा. खेरीज कामगार लोकांची संख्या वाडिल्ल्या कारणान तांकां ही सेवा परवडूंक शकता. तुमकां वखदां निर्माण करपी कंपनींचे प्रतिनिधी म्हूण संद मेळूंक शकता.

सरकारी दवाखाने, खाजगी हॉस्पिटलां हातूंतय सेवा दिवपाची संद मेळूंक शकता. होमीओपॅथीक म्हाविद्यालयांत तुमी शिकूंक शकता वा संशोधन कार्यांत संद घेवंक शकतात. मॅडिकल म्हाविद्यालयां, धर्मदायी संस्था, क्लिनीक, प्रशिक्षण दिवपी संस्था, फार्मास्युटिकल कंपनी, नर्सींग होम सारक्या सुवातींनी तुमकां संद मेळूंक शकता. इत्सूक उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या पुस्तकांचें जरूर वाचन करचें.

Homoeopathy: The Complete Handbook by K.P.S. Dhama

Wonders of a Single Dose in Homoeopathy: 2nd Edition by Dr. K.D. Kanodia

Principles of natomy and Physiology by Gerard J. Tortora and Sandra Reynolds Grabowski

Group Study in Homeopathic Materia Medica by J.D. Patil

तुमी जर ह्या फांट्याक पसंती दिवपाक पळयतात तर काराय शिरोड्यां आशिल्ल्या गोवा विद्यापिठाक संलग्न आशिल्ल्या 1998 वर्सा सुरू जाल्ल्या म्हाविद्यालयाक जरूर भेट दियात. (संपर्का खातीर फोन 0832 2306842/2307442 हे खेरीज तुमी कॉलेजीच्या संकेतथळाक भेट दिवन अदीक म्हायती घेवंक शकतात. (www.homoeopathycollegegoa.com)

म्होंवाचें बोट

पारख

काशिनाथ नायक
9158345844

मनशाच्या मनांत कितें शिजता देव जाणा ताचे चित्र कोणूच काडूंक शकना. कारण मनशाच्या दिसण्याचेर वा उलोवण्याचेर वचूं नाकात. ताच्या मनाचो थाव घेवपाक जाय. केन्ना केन्ना आमीच कोणाकोणाक आडेचे रंगयता, हिसपा भायर माथ्यार घेता. एक दीस आमचोच भ्रम देंवता. जायते खेपे भायल्यान पळोवंक मनीस सामको थंड दिसता, पूण भितर तसो आसना. केन्ना केन्ना आमचे आमीच थारायतात अमूक एक मनीस सामको बरो म्हूण, पूण जेन्ना स्वताक ताचो अणभव येता तेन्ना कळून चुकता की आमचो अंदाज चुकलो. अणभव घेतले बगर कोणाकूच बरो वा वायट आमी थारावंक शकनात. कांय जाण दिसपाक थंड दिसतात पूण तांचे भितर सतत वादळां चालूच आसतात. खंयच्याय मनशाचो अणभव घेतले बगर वा ताचे मन समजून घेतले बगर आमी ताच्या चारित्र्या विर्शी उलोवं नजो. मनीस हो मुळांत एक तेरेबंगाली आनी नाटकी. तो करता तें खंयचें नाटक असली आनी खंयचें नाटक नकली कळपाक मार्ग आसना. तें ताकाच कळपाचें. पूण कांय जाण खुबूच शाणे आसतात तें अचूक मनीस पारखितात. पारख आसची स्वताची आनी दुसऱ्याचीय. जो स्वताक वळखता तोच दुसऱ्याक वळखूंक शकता. हांव तुका वळखूंक शकलो ना. बऱ्या खातीर वा वायटा खातीरूय आसूं येता. अशें आमी नकळत म्हणून चल्लें. खूब फावटी जाता अशें संदीसाधू, सुवार्थी लोक तुजो फक्त फायदो तितलोच घेता. मागीर तुका तें लागीं रावनात. उरफाटें जांकां आमी पयस केल्लें आसता तेंच लोक निमाणें तुका पावता, तेन्ना पश्चातापाची दुकां गळोवन कितें फायदो?

■ **मुद्रक आनी प्रकाशक प्रमोद आचार्य** हांणी प्रुडंट मिडिया (गोवा) प्रा.लि. गोंय हांचे वतीन हें पत्र एलेगंट ऑफसेट प्रिंटर्स प्रा. लिमिटेड, प्लॉट नं. **2-3-4**, थिवी इंडस्ट्रीयल इस्टेट करासवाडो, म्हापशें-गोंय हे सुवातेर **छापून** दुसरो माळो, फोर्थ इस्टेट (कामत मॅट्रोपोलीस) सांत इनेज, पणजी-गोंय हांगां **प्रकाशीत** केलें.

■ **संपादक: महेश महादेव दिवेकार** (पीआरबी कायद्या खाला संपादकी जबाबदारी)
■ **पणजी कचेरी:** दुसरो माळो, फोर्थ इस्टेट (कामत मॅट्रोपोलीस) सांत इनेज, पणजी-गोंय हे सुवातेर उजवाडायलें. फोन नं. **2405952**.

■ **ई-मेल: bhaangarbhuin@gmail.com** (बातम्या खातीर) **bhaangarbhuineditorial@gmail.com** / (लेख आनी साहित्या खातीर) / **bhaangarbhuinadvt@gmail.com** (जायरातीं खातीर). ■ **सुचोवणी :** अंकात व्यक्त जावपी मतां कडेन संपादक-प्रकाशक-मालक सहमत आसतलेच अशें ना. मजकुराची जापसालदारकी बरोवपी- जायरातदार हांची आसतली.

हरमला टँकरांतल्यान उदकाची पुरवण

नळांक उदक ना: बांयो जाल्यात प्रदुशीत

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

पेडणें: हरमल पंचायत वाठारांत व्हडा प्रमाणांत उदकाची समस्या खरपणान जाणवपाक लागल्या. स-स म्यने हांगा नळांक उदकूच नासता. पूण उदकाची बिलां मात वेळार येतात, अशी म्हायती थळावे नागरीक संदीप गावडे हांणी दिली.

सरकार एके वटेन फुकट उदक दिवपाची घोशणा करता. पूण जांचे घरांनी नळ आसा तांकां नेमान उदक मेळना. ताका लागून हांगच्या नागरिकांनी तिडक उक्तायल्या.

पेडणें म्हालांत चांदेल प्रकल्पांतल्यान येवपी उदक नेमान येनाशिल्ल्याच्यो कागाळी फाटल्या कितल्याशाच वर्सां सावन सुरू आसात. ज्या मतदारसंघांत हो प्रकल्प उबारला त्या मतदार संघांत उदक नेमान येनाशिल्ल्याच्यो कागाळी आसात. मांद्रें मतदारसंघांत उदकूच येना, अश्यो कागाळी वाडपाक लागल्यात.

सद्या हांगा टँकरांतल्यान उदकाची पुरवण करता. तेंच उदक जेवणाक-पिवपाक वापरता. हें उदक जिवाक माल पडपाक शकता हाची सरकारान आनी भलायकी खात्यान दखल घेवची, अशी मागणी हांगचे नागरीक करतात.

हरमला टँकरांतल्यान जावपी उदकाची पुरवण. (निवृत्ती शिरोडकार)

तेन्नाचे मुख्यमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकार हांणी मांद्रें मतदारसंघांत उदकाची समस्या लक्षांत घेवन तीस एम एलडीचो नवो उदकाचो प्रकल्प उबारपाची येवजण तुयां केल्ली. उपरांत तांकां निवडणुकेक अपेस आयिल्ल्यान ही येवजण आडखळून उरली.आतां नवो वेंचून आयिल्लो आमदार जित आरोलकार हांणी ह्या प्रकल्पाक कडेन लक्ष दिवन मांद्रें मतदार संघांतलो उदकाचो प्रस्न सुटावो करचो, अशी मागणी नागरीक करतात.

चांदेल प्रकल्पांतल्यान येवपी उदक घरांनी वापरपाक दिवपाची सरकाराची येवजण आशिल्ली. पूण घरांतल्या लोकांक उदकाची पुरवण सारकी जायनाशिल्ल्यान कांय उद्देगीक वसणुकांनी, हॉटेल वेवसायिकांक ह्या उदकाची पुरवण करतात, अश्यो कागाळी नागरीक करतात. पयलीं उदक दियात मागीर उरता तें उदक वेवसायिकांक दिवचें. पूण एका कनिश्ठ अभियंत्यान आपल्या अधिकाराचो वापर करून वेवसायिकांक उदक दिवपाचो यत्न फाटल्या वर्सा सावन केला. ह्या अभियंत्या कडेन लोकांनी बरेच फावट उदका खातीरची मागणी लेगीत केल्ली. पूण हाचे कडेन कोणेंच लक्ष घातलें ना. नव्या वेंचून आयिल्ल्या आमदारान आनी नव्या सरकारान हाचे कडेन खरपणान लक्ष घालचें, अशी मागणी नागरीक करीत आसात.

परंपरीक बांयां कडेन लक्ष दिवचें

पयलीं दरेका घरांत वा वाड्या वाड्यार परंपरीक बांयो आसताल्यो. बांयच्या उदकाचो वापर लोक करताले. खूबश्या बांयचो सद्या कोणूच वापर करिनात. त्यो तश्योच पडून आसात. वापरिनाशिल्ल्यान दोंगरांचेर, रानांनी वा लोक वसणुकेंत शौचालय उबारल्यात. ह्या सगळ्याच शौचालयांक भलायकी खात्याचें प्रमाणपत्र नाशिल्ल्यान घाणयारें उदक त्या बांयनी वचून त्यो प्रदुशीत जाल्यात. हाचेय कडेन लक्ष दिवपाची मागणी नागरीक करतात.

गुरू-आर्या महाऋषिका प्रीती द प्रेसेन्स फावंडेशनाच्या मार्गदर्शना खाला मालपें-पेडणें हांगच्या वानरमारी समाजाक अर्थीक मजत करतना मानेस्त आनी हेर. (मकबूल माळगीमनी)

मालपेंच्या वानरमारी समाजाक मजत

गुरू-आर्या महाऋषिका प्रीती द प्रेसेन्स फावंडेशनाचो उपक्रम

■ भांगरभूंय | बातमीदार

कोरगांव: मालपेंच्या रानांत रावपी वानरमारी समाज फाल्या कितल्याशाच वर्सां सावन हांगा राबितो करून आसात. ह्या लोकांक आजून कसलेच तरेच्यो सुविधायो मेळूंक ना. सरकार आसा पूण सरकाराच्यो ज्यो सुविधायो लोकां मेरेन पावपाक जाय त्यो आजून पावूंक ना.

हांगा वानरमारी समाजाचीं 11 कुटुंबां रावतात. ह्या लोकां कडेन आजून आधारकार्ड वा वोटींग कार्ड लेगीत ना. हांगा कांय विद्यार्थीय आसात. पूण तांचे कडेन प्रमाणपत्र, जल्म प्रमाणपत्र नाशिल्ल्यान तांकां शाळेंत घेनात. ताका लागून हांगा जे विद्यार्थी आसात ते हांगाच शिकतात आनी कांय नागरीक तांकां मजत करतात. तांकां सदां खातीर लागपी सामान हाडून दितात.

ह्या लोकांक हांगच्या जमीन धनयान रावपाक जागो दिल्ल्यान ते तांचे उपकारी आशिल्ल्याचें सांगतात. हे लोक जे मजुरी करून आपलीं पोटां भरतात तांचे मेरेन सरकाराच्यो येवजण्यो पावप गरजेचें.

हालींच ह्या वानरमारी समाजाक गुरू - आर्या महाऋषिका प्रीती द प्रेसेन्स फावंडेशन हांच्या मार्गदर्शनाखाला अर्थीक मजत दिली. ह्या वेळार

द प्रेसेन्स फावंडेशन ट्रस्टीचे वांगडी ज्ञानेश्वर नरतवडेकर, हेर सेवक नरेंद्रा खन्ना, वर्षा सिंग आनी हेर हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार तांणी ह्या वानरमारी समाजाच्या लोकांक जिणे गरजेच्यो वस्तू आनी विद्यार्थ्यांक शाळेचें सामान भेटयलें.

शिवसेने वतीन आयज म्हापश्यां शिवजयंती

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

म्हापशें : शिवसेनेच्या म्हापशेंच्या कार्यकर्त्यां वतीन आयज, ता. 21 मार्चाक सकाळीं 11 वरांचेर टॅक्सी स्टँडाचे कुशीक छत्रपती शिवाजी महाराजांची जयंती मनयतले.

फाटल्या 33 वर्सां सावन हे कार्यावळीचें आयोजन हांगचे वेवसायीक श्रीकांत सीमेपुरुषकार हांच्या संयोजनाखाला करता.

ह्या वेळार मुखेल सोयरे म्हणून आदले नगराध्यक्ष सुधीर कांदोळकार, शिवसेनेचे गोवा राज्य मुखेली जितेश कामत, आदले राज्य मुखेली रमेश नायक, गोमंतक मंदीर महासंघाचे अध्यक्ष चंद्रकांत ऊर्फ भाई पंडीत, सामाजीक कार्यकर्ता दीपेश नायक, संजय बर्डे, जयेश थळी आनी तुषार टोपले हाजीर आसतले.

ह्या वेळार कांय मानेस्तांचो भोवमान करतले. हातूंत शिवोलेच्या डॉ. सचिन गोवेकार, म्हापशेंचे सारस्वत विद्यालय संस्थेच्या काकुलो महाविद्यालयांतले अध्यापक जनार्दन ताम्हणकार, पद्मनाभ संप्रदायाचे किटला, साल्वादोर द मुन्द हांगचे प्रचारक सुभाष साळगांवकार, खाजगी बसमालक संघटणेचे अध्यक्ष सुदीप ताम्हणकार, मोपा विमानतळ संघर्श समितीचे कार्यकर्ते नारायण गडेकार, बांबोळेचे सामाजीक कार्यकर्ता रामा काणकोणकार आनी सुकूर-पर्वरीचे नाट्य कलाकार रामा साळगांवकार हांचो आसपाव आसा.

ही कार्यावळ कोरोना म्हामारीचे सगळे नेम पाळून जातली, अशें आयोजकांनी कळयलां.

मुरगांव पत्रकार लेखक संघा वतीन फाल्यां चलपाचे सर्तीचें आयोजन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

मुरगांव: मुरगांव पत्रकार लेखक संघा वतीन ज्येश्ठ नागरिकां खातीर अखिल गोंय पांवड्यार चलपाचे सर्तीचें आयोजन मंगळार, ता. 22 मार्चाक सांजच्या 4 वरांचेर केलां. ही सर्त 60 पिरायेक वयल्या बायलां आनी दादल्यां खातीर आसतली. तशें 70 पिराये वयल्या दादलो गटा खातीर अशा तीन गटांनी ही सर्त घेतले.

हे सर्तीक जोशी चौकांत सुरवात जातली. उपरांत दामोदर मंदिराकडेन वोल्त मारून परत जोशी चौका कडेन येवन ही सर्त सोंपतली. चड म्हायती आनी नांवां नोंद करपा खातीरकॅली फुर्तादो (9923483426) वा जगदीश दूर्भाटकार (7798985623) हांचे कडेन संपर्क करचो, अशें आयोजकांनी कळयलां.

रवीन्द्र बाबाचे विचार सगळ्यां मदीं पावप गरजेचें

दिलीप बोरकार: गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागान मनयली रवीन्द्र केळेकार जयंती

■ भांगरभूंय | खबरां मेज

पणजी: आयज रवीन्द्र बाबाचे विचार सगळ्यांमदीं पावप गरजेचें. कोंकणी समाजाक एकठांय हाडपाचो हावेस बाळगुपी रवीन्द्र बाब हे कोंकणी साहित्याक पडिल्लें सपन जावन आसा. आनीक दोन वर्सांनी रवीन्द्र बाबाचें जल्मशताब्दी वर्स मनयतात. देखून आमी सगळीं एकठांय येवन रवींन्द्र बाबांचो दरेक संकल्प तडीक व्हरपाक यत्न करुया, असो हावेस ज्येश्ठ साहित्यीक आनी कोंकणी कार्यकर्ते दिलीप बोरकार हांणी गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागान आयोजीत केल्ल्या 'रवीन्द्र केळेकार जयंती' निमतान उक्तायलो.

ही कार्यावळ गोंय विद्यापीठान 'ब्लॉक बी'च्या सॅमिनार हॉलांत जाली. हे कार्यावळीक कोंकणी विभाग मुखेली डॉ. हनुमंत चोपडेकार तशेंच सहयोगी प्राध्यापक डॉ. प्रकाश पर्येकार हाजीर आशिल्ले. कार्यावळीचें प्रास्तावीक आनी मानेस्तांची वळख डॉ. चोपडेकार हांणी केली. लेखकांकडेन संवाद सादपाची म्हत्वाची प्रक्रिया विभागान सुरु जाल्ल्यान विद्यार्थ्यांनी हाचो फाव तसो लाव घेवचो अशें विभाग मुखेल्यांनी सांगलें.

कोंकणी सरस्पत मंडळाचे अध्यक्ष गौरांग भांडीये हांणी मानेस्तांक फुलां भेटोवन येवकार दिलो. आकाश गांवकार, गौरी मावळींगकार आनी मानसी धाऊस्कार हांणी आपले उमाळे लेखकाकडेन उक्तायले.

हे कार्यावळीक विभागांतले हेर प्राध्यापक तशेंच भाग 1 आनी भाग 2चे विद्यार्थी हाजीर आशिल्ले. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन आनी उपकाराचें उलोवप प्रा. गोरक शिरसाट हांणी केलें.

गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागाच्या विद्यार्थ्यां वांगडा दिलीप बोरकार, डॉ. प्रकाश पर्येकार आनी हेर.

मळब

भगिनी निवेदिता

एक सुंदर चरित्र

विशाल सिनाय खांडेपारकार
8080622370

लेखक अभय कुमार वेलींगकार हांणी भगिनी निवेदिता हिचें चरित्र कोंकणींत रुपांतरण केलां. हें पुस्तक शणै प्रकाशनाचे वतीन उजवाडायलां. आमची मातृभूंय जेन्ना जायते अडचणींनी सांपडली, त्या वेळार पश्चिमी देशांतले जायते जाण आपूण जावन मजतीक आयले. कुमारी मागरिट नोबेल ही तातूंतली एक. ती आयलँडांतल्यान भारतांत आयली. उपरांत निवेदिता जावन नामनेक पावली. त्या वेळार आयलँड्यू भारता वरीच आपल्या स्वातंत्र्या खातीर झुजतालें. आयलँडांतले इगर्जींतलो पाद्री जोन नोबेल हांची श्रध्दास्थानां म्हळ्यार देव आनी मातृभूंय आयलँड. तांचो पूत सॅम्युअल नोबेल होय पाद्रीच आसलो. ताचें मॅरी हेमिल्टन नांवाचे सोबीत चलयेकडेत लग्न जाल्लें. तांगेर 1967 - त मागरिटाचो जल्म जाल्लो. तिचें नांव मागरिट एलिजाबेथ नोबल दवरलें. धिटाय आनी शक्ती तिका आज्या कडल्यान मेळ्ळी. जाल्यार बापयकडल्यान देशभक्ती आनी काकुटेचो वारसो मेळिल्लो. जाल्यार तिका आवय कडल्यान सोबीतकाये वांगडाच ल्हव मन आनी काकुळट दिसपाची देण मेळिल्ली. मागरिट सदांच आपल्या आज्या बापाय वांगडा गरिबांच्या खोपिंनी वताली. तांची सेवा करपाक मजत करताली. सामकी ल्हानपणा सावन दिनदुबळ्यांची सेवा करप. हीच तिची आवड. एक दीस तिका पादरी मेळूंक आयलो. ताणें आपल्या सानुले इश्टीणीक म्हणलें-

चलये, भारत तुजी वाट पळयता. भारतान एक दीस म्हाका आपयलो, आतां एक दीस तो तुकाय आपयतलो. ताका जाप दिवंक तयार राव. ह्या उतरांनी त्या सानुलेचें मन हाल्लें. तिच्या दोळ्यांत वेंगळेंच तेज दिसलें.

मागरिटाचो बापूय सॅम्युयल हाचें काम खूब त्रासाचें आसलें. ताका 34 वर्सां पिराचेर मरण आयलें. मरणा वेळार ताणें आपले बायलेक आपोवन सांगलें- हिका जेन्ना देव आपयतलो. तेन्ना मागरिटाक वचूंदी. ही चिरमुली आपलें सगलें कसबपणाक लावन व्हड काम करतली.

1895 हें वर्स, तिच्या जिवितांत दिका घेवन आयलें. इसाबेल मार्गेसान हिणें आपणागेर एका भारतीय संताचे भेटीक आमत्रंण दिल्लें. ते भेटीचो (स्वामी विवेकानंद) प्रसंग तिणें स्वताच चित्रारला-जमनीर आसन मांडी घालून बशिल्ली, भगव्या रंगाचे कपडे घाल्लो. कमरा भोंवतणी तांबडी शाल गुठलायिल्लो. एक भव्य पुरूस हांवें पळयलो. मागरिटाक स्वामी विवेकानंदजी कडल्यान संदेस आयलो- आमकां दादल्याची न्हय जाल्यार बायल सेवेकेची गरज आसा. भारतियांच्या आनी चड करून बायलांच्या सेवे खातीर आमकां शिंवीणी वरी पराक्रम करपी बायल जाय. शिरत्रांनी खेळपी आयरीश रगत,भारताक तुजे सारक्या बायलेची न्हय, तुजीच गरज आसा.

28 जानेवारी 1898 दिसा मागरिटाक घेवन येवपी बोट कलकत्ता बंदरांत पावली. पूण परतून निवेदिता 1901 त भारतांत परतली. बोसपाडा बोळांतल्या 17 नंबराच्या घरांत ती रावताली. त्याच घरांत तिणें शाळा थाटली. तिचें घर म्हळ्यार त्या काळांत बुध्दीमान लोकांचें आनी स्वातंत्र्याचे झगडपी राजकीय फुडार्‌यांचें विसव घेवपाचें थळ जाल्लें.

1902, जुलयाचे 3 तारखेर रातची स्वामीन म्हासमाधी घेतली. निराशेव दुकां घालयत बसप, हें निवेदिताच्या सबावांत नासलें. शिवीणीन आपल्या सावदाक सोदूंक तयार जावचें. आयळ फाफुडची आनी व्हडान आड्डात नेटान पावलां मारची, ते परी निवेदिता उबी रावली. 1905 ह्या दिसा ती दुयेंत पडली. तिच्या इश्टांनी चड करून रामकृष्ण आश्रमांतल्या धर्म प्रसारांनी तिची सेवा केली. उपरांत तिचें दुयेंस वाडत गेलें. भारत देशा खातीर कुयदाद केली. घाणयारे वाठार नितळ केले. कांय तरणाट्यांक मुखार येवन काम करपा खातीर प्रेरीत करून प्रोत्साहन दिलें. तांणी इंग्रेजी वर्तमान पत्रकांनी प्लेग रिलीफ गती विधी आनी प्लेगाचे संबंदीत सुटका मेळपा खातीर अर्थीक मजत मागली.

आयज हिमालयाचे कुशींत हे म्हान बायलेची कूड विसव घेता. तिचे समाधीच्या रुपांत सामको सादो उंचवटो उबारलां. ताचेर बरयलां- जिणें आपले सर्वस्व भारताक दिलें, ती निवेदिता हांगा विसव घेता.

पूण निवेदितान थापिल्ली ल्हानशी शाळा हें तिचें खरें स्मारक आसा. तशेंच ती आतां राष्ट्रवादी केंद्र जालां. ते शाळेचो आनी ताचे फाटल्या हेताचो आतां भारतभर विस्तार जाला. हजारांनी चलयो-बायलांक ते संस्थेन शिकप मेळया.

शुन्यांतल्यान हें सगळें उबारपी हें म्हान बायलेचे यादीनूच कोणायची मान बावगुची. दरेकल्यान तिचें कार्य मुखार व्हरूंक फुडें सरचें. तिच्यो आरती गांवच्यो.

साळ गड्यां वेळार आमदार शेट्येन घेतलें देवदर्शन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

दिवचल: दिवचल म्हालांतल्या साळांतले फामाद गडे व्हडा उमेदीन मनयले. गड्यांक दिवचल मतदार संघाचे नवे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाजीर रावन होळी आनी देवळाचें दर्णन घेतलें.

हो उत्सव दीन दीस आसता. शेनवारा रातच्या वेळार डॉ. शेटये हांणी साळांत गड्यांक हाजीर रावन जनतेचे अभिवादन स्विकारलें. ह्या वेळार श्री महादेव भूमिका देवळाचे अध्यक्ष कालिदास राऊत आनी हेर महाजनांनी तांकां येवकार दिलो. तांचे वांगडा लाटमबारसे जिल्हो पंचायतचे आनले जिल्हो पंचायत वांगडी संजय शेटये हाजीर आशिल्ले.

डॉ. शेटये हांणी श्री महादेवाच्या चरणां कडेन फुलांचो हार अर्पण करून श्रीचें कौल, प्रसाद घेतलो.

ह्या वेळार पुरयत यशवंत गाडगीळ हांणी गाराणें घातलें. डॉ. शेटये हांणी हांगा हाजीर आशिल्ल्यां कडेन चर्चा केली, तशेंच कांय जाणांच्या घराक भेट दिली. तांचे वांगडा देवळाचे अध्यक्ष कालिदास राऊत तशेंच नीलेश परब, साजरो घाडी, रवी राऊत, सतीश राऊत, प्रेमानंद परब, राजेंद्र राऊत, सगूण राऊत, संतोष राऊत, गौरेश राऊत आनी हेर हाजीर आशिल्ले.

साळांत गड्यांक होळीचें दर्शन घेतना आमदार डॉ. चंद्रकांत शेटये, वांगडा अध्यक्ष कालिदास राऊत, साजरो घाडी, आदिनाथ परब आनी हेर. (विशांत वझे)

प्रियांका प्रकाशना वतीन फाल्यां बायलांचो भोवमान

■ भांगरभूंय | बातमीदार

आगशी : ताळगांवच्या प्रियांका प्रकाशना वतीन फाल्यां, 22 मार्चाक साबार मळांचेर बरें काम केल्ल्या पांच बायलांचो भोवमान करतले. ही कार्यावळ सांजच्या 4.30 वरांचेर पणजेच्या गोमंतक साहित्य सेवक मंडळाच्या सभाघरांत आयोजीत केल्या.

ह्या भोवमान सुवाळ्याक मुखेल सोयरी म्हणून अभिनेत्री अमिता नायक सलत्री हाजीर रावतल्यो. तशेंच खासा सोयरे म्हणून गोमंतक साहित्य सेवक मंडळाचे अध्यक्ष रमेश वंसकार आसतले.

मडगांवची नामनेची लेखिका आनी राज्य शिक्षक पुरस्कार फावो जाल्ली पुष्पा गायतोंडे, डोंगरेरची गीता किशोर नायक, ताळगांवची सामाजीक कार्यकर्ती वासंती नारायण नायक, पेडणेंच्या भगवती हायस्कुलाची शिक्षिका प्रिया तांकसाळी, बोरयेची लेखिका आनी सामाजीक कार्यकर्ती जयंती देसाय रमण हांचो ह्या वेळार मुखेल सोयऱ्यां हस्तुकीं भोवमान जातलो.

ह्या भोवमान सुवाळ्याक बायलांनी आनी नागरिकांनी हाजीर रावपाचें आवाहन प्रियांका प्रकाशनाची प्रियांका तळवडेकरा हांणी केलां.

हैदराबाद एफसी आयएसएल वस्ताद

गोलकी लक्ष्मण कट्टीमणी थारलो जैताचो हिरो : पेनल्टी शूट आवटांत केरळाक 3-1 गोलांनी हारयलो

■ भांगरभूंय खेळां प्रतिनिधी

मडगांव: फातोंड्ड्याच्या नेहरु स्टेडियमाचेर जाल्ले इंडियन सुपर लीग (आयएसएल) फुटबॉल सर्तीचे फायनलींत केरल ब्लास्टर्साक पेनल्टी शूट आवटांत 3-1 (1-1) गोलांनी हारोवन हैदराबाद एफसीन पयलेच खेप वस्तादपण मेळयलें. तांच्या ह्या जैताचो हिरो थारलो तो तांचो गोलकीपर लक्ष्मीकांत कट्टीमणी. सदच्या 90 मिनटांच्या खेळांत 1-1 अशी गोल बोरोबरी जाल्ले उपरांत 30 मिनटांच्या अतिरिक्त खेळांत मॅचीनो निकाल लागपाक शकलो ना. निमाणे पेनल्टी शूटआवटाचेर ताचो निकाल लावचो पडलो. ह्या वेळार लक्ष्मीकांत कट्टीमणीन तीन पेनल्टी आडावन पंगडाक पयलेच फावट जैतिवंत केलें.

सदच्या 90 मिनटांच्या खेळांत राहूल केपीन 68 मिनटाक गोल करून केरळा ब्लास्टर्साक गोल 1-0 अशी आघाडी मेळोवन दिल्ली मात साहील तावोरान 87व्या मिनटाक हैदराबादाक गोल बोरोबोरी करून दिली. ताका लागून उपरांत दरेकी 15 असो 30 मिनटांच्या खेळांत मॅचीचो निकाल लागपाक शकलो ना.

केरळा ब्लास्टर्स सेगीत तिसरे फावट फायनलींत पावलो पूण हे फावटूय ताकां नशिबान हात दिलो ना. 2014 आनी 2016 वर्सा केरळान फायनलींत प्रवेश केल्लो. ताका त्या वेळार एटीकेकडल्यान हार खावची पडिल्ली. सर्तीत वस्तादपणे मेळोवपाचें तांचें सपन हे फावट लेगीत प्रत्यक्षांत येवपाक शकलें ना. पुराय मॅचींत खेळाचेर वर्चस्व गाजोवपी केरळ ब्लास्टर्स हे खेप वस्तादपण मेळयतलो अशें दिसतालें. मात हैदराबाद एफसीन खेळ सोपपाक कांय मिनटां आसतना 1-1 अशी बोरोबोरी करपी गोल केलो. ब्लास्टर्साचो गोलकी प्रभसुखन गील हाणे हैदराबादचे 7 ऑन टार्गेट यत्न फळादीक जावपाक दिले नात. पयल्या हॉफांत

केरळाच्या खेळगड्यांनी मेळिल्ले संदीचें भांगर केल्लें जाल्यार ताचेर हार खावपाची वेळ येनाशिल्ली.

पेनल्टी शूट आवटाचो थरार

केरळा ब्लास्टर्साच्या मार्को लेस्कोव्हिचची पयली पेनल्टी कट्टीमणीन आडायली. ते उपरांत हैदराबादच्या जोओ व्हिक्टरान गोल केलो. निशू कुमाराची पेनल्टी कट्टीमणीन आडायली मात कुमारान कीक मारचे पयलीं कट्टीमणी फुडें आयलो म्हणून रेफ्रीन कुमाराक परत पेनल्टी कीक मारपाक सांगली. मात ताणे गोल करपाची संद वोगडायली. हैदराबादच्या सिव्हेरिओलाक पेनल्टीचेर गोल करपाक अपेश आयलें. ब्लास्टर्साच्या आयुष अधिकारीन बोरोबोरीचो गोल केलो मात खासा कबारान गोल करून हैदराबादाक 2-1 अशी आघाडी मेळोवन दिली. कट्टीमणी ब्लास्टर्सां सामका वणत अशी उबो राविलो आनी जॅक्सन सिंगाची पेनल्टी आडावन हैदराबादक जैताच्या दारांत व्हेलें आनी हालिचरण नर्झरीन गोल करून पंगडाक 3-1 अशें जैतिवंत केलें.

सदच्या 90 मिनटांच्या खेळांत 14व्या मिनटाक हरमनज्योत खाब्राच्या क्रॉसाचेर जॉर्ज डाएझान हेडराचेर गोल करपाचो यत्न केलो. मात तो ऑफ टार्गेट जालो. दोनूय पंगडांनी आक्रमण करून गोल करपाचे यत्न केले मात बॉलाक गोल पोस्टांक घालपाक कोणाकूच येस आयलें ना. अदूंचे आयएसएस सर्तींत 18 गोल करपी हैदराबादचो बार्थोलोमेव ऑग्बे पयल्या हाफांत खंयच दिसलो ना.

वैयक्तीक पुरस्कार: वर्सांतलो उगोवतो खेळगडो- नाओरेम सिंग (बंगलोर एफसी)

गोल्डन ग्लोव पुरस्कार-

वैयक्तिक पुरस्कार- प्रभसुखन गिल (केरला ब्लास्टर्स एफसी)

गोल्डन बूट पुरस्कार- बार्थोलोमेव ऑग्बेचे (हैदराबाद एफसी)

हिरो ऑफ दी लीग- ग्रेग स्टीवर्ट (जमशेदपूर एफसी)

शेन वॉर्नाचेर मेलबर्नांत निमाणे संस्कार

■ खबरां संस्था

मेलबर्न- ऑस्ट्रेलियेचो दिग्गज स्पीनर शेन वॉर्नाक तांच्या घरच्यांनी आनी इश्टांनी निमणो निरोप दिलो. ह्या खाजमी निमण्या संस्कारा वेळार वॉर्नाची जॅक्सन, ब्रुक आनी समर ती तिनूय भुरगीं, आवय किथ आनी बापुय ब्रिजिट हाजीर आशिल्लो. तशेंच 80 गॅस्ट हाजीर आशिल्ले. वॉर्नाचेर 30 मार्चाक सरकारी इतमामांत मेलबर्न क्रिकेट मैदानार निमणे संस्कार करतले. तातूंत सगल्यांक वांटेकार जावपाक मेळटलें. एमसीजीच्या ग्रेट सदर्न स्टँडाक शेन वॉर्नाचें नांव दितले.

शेन वॉर्न कांय दिसां पयलीं इश्टांवांगडा थायलंडांत सुट्टी मनोवपाक गेल्लेकडेन थंय ताका काळजा आताक येवन ताका मरण आयिल्लें. आठ दिसां पयलीं ताची कूड विमानान ऑस्ट्रेलियेंत हाडिल्ली. शेनाचो लागीचो इश्ट एडी मॅग्वायर हाणे ताचें स्तवन (यूलॉजी) वाचलें. निमण्या संस्कारा वेळार तो मास्टर ऑफ सेरेमनी लेगीत आशिल्लो. मुराबिनांत हे निमणे संस्कार जाले. आमंत्रण दिल्ल्या गॅस्टांक सेंट किल्डा स्कार्फ घालपाक सांगिल्लें. तशेंच तें

शेनाच्या कॅफिनाक गुठलायल्लें. शेन सेंट किल्डा फुटबॉल क्लबाकडेन संबंदीत आसा. कॅफीन व्हरतना 1970च्याबिल मेडले आनी जेनिफर वॉर्न्स हांचें 'द टाइम ऑफ माय लाइफ' हे हीट पद वाजयल्लें.

ऑस्टेलियेचो आदलो कॅप्टन मार्क टेलर, ॲलन बॉर्डर, मायकल क्लार्क, ॲड्रयू सायमंड्स, इंग्लडाचो आदलो कॅप्टन मायकल बॉन, ऑस्ट्रेलियेचो आदलो खेळगडो मर्व्ह ह्युजेस, ग्लेन मॅकग्रा, मार्क वॉ आनी इयान हिली निमण्या संस्कारा वेळार हाजीर आशिल्ले.

मोईन अलीक भारतांत व्हिसा मेळूंक ना : सीएसकेचेर ताण

■ खबरां संस्था

सुरत: 26 मार्च सावन आयपीएलाच्या 15व्या सिझनाक सुरवात जातली. सर्तींतली पयली मॅच चेन्नस सुपर किंग्स (सीएसके) आनी कोलकाता नायट रायडर्स (केकेआर) हांचे मदीं वानखेडे मैदानार जातली. हे मॅचीक फकत 6 दीस बाकी आसतना सीएसके पंगडाचें टेन्शन वाडलां. पंगडांतलो स्टार खेळगडो मोईन अलीक फाटल्या 20 दिसासावन भारतांत येवपाक व्हिसा अजून मेळ्ळो ना.

मोईनान 28 फेब्रुवारीक व्हिसा खातीर अर्ज केल्लो. तो हरशी भारतांत येत आसता. तरीय ताका व्हिसा अजून मेळूं ना अशें सीएसकेचे सीईओ काशी विश्वनाथ हांणी सांगलें. मॅच सुरू जावचे पयलीं तो भारतात दाखल जातलो. हे खातीर आमकां बीसीसीआयची मजत मेळटली अशी आमकां आस्त आसा अशें तांणी सांगलें.

मोईन अलीन पोरूं अश्टतासी

कामगिरी केल्ल्यान सीएसकेन ताका अंदूच्या सिझना खातीर 8 कोटी रुपयांक पंगडांत रिटेन केल्लें. आयपीएलांत मोईन अलीन 15 मॅचींत 666 धांवड्यो आनी 16 विकेटी घेतल्यात. मजगतीं सीएसकेन सुरतांत सरावाक सुरवात केल्या. कॅप्टन धोनी सयत हेर खेळगडे नेटान तयारी करतात. आयपीएलांत मुंबय इंडियन्सांचेर 5 फावट जैत मेळोवपी सीएसकेन सगल्यांत चड 4 फावट आयपीएलांत वस्तादपण मेळयलां.

सेरावली- बाणावली रस्त्याचो अहवाल सादर करपाचो आदेश

■ भांगरभूंय प्रतिनिधी

पणजी: सेरावली तें बाणावली ह्या 2.75 किलोमीटर मडगांव वेस्टर्न बायपास बांदकामाचो 18 एप्रील पयलीं स्थितीजन्य अहवाल सादर करपाचो आदेश मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपिठान कंत्राटदार एम व्यंकटराव इन्फ्रा पोजेक्ट कंपनीक दिला. ते उपरांत रस्त्याची बांदकाम खात्यान पळोवणी करून 25 एप्रील पयलीं ताचो अहवाल सादर करपाक खंडपिठान सांगलां.

मडगांव रिंग रोड आनी वेस्टर्न बायपास संबंधी खंडपिठान आपूण जावन दखल घेतल्या. ॲड कैफ नुरानी हांची खंडपिठान ॲमिकस क्युरी म्हणून नियुक्ती केल्या.

सेरावली तें बाणावले मेरेनच्या रस्त्याचें बांदकाम अजून पुराय जालें न. रस्तो बांदकामाक पुलीस संरक्षण दिवपाक खंडपिठान सांगलां.

नगराध्यक्ष शुभांगी वायंगणकाराकडेन भासाभास करतना वेपारी संघटनेचे अध्यक्ष श्रीपाद सावंत आनी हेर पदाधिकारी.

म्हापशें मार्केटांतल्यो समस्या सुटाव्यो करपा खातीर निवेदन

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

म्हापशें: म्हापशें मार्केटांतले फोडणुकां पडिल्ले रस्ते, सुलभ शौचालयाची जाल्ली दुर्दशा, गटारांची नितळसाण हाचेकडेन म्हापशें वेपारी संघटनेच्या नवे कार्यकारी समितीन नगराध्यक्ष शुभांगी वायंगणकार हाचें लक्ष ओडून पावसा पयलीं हीं सगळी कामां करचीं तशेंच मार्केटांत ज्यो समस्या आसात त्यो सुटावो करचो अशी मागणी करून तशें लेखी निवेदन तांकां भेटयलें.

वेपारी संघटनेचे अध्यक्ष श्रीपाद सावंत आनी तांच्या पदाधिकाऱ्यांनी मंगळारा नगराधयक्षाची सदिच्छा भेट घेतली. मार्केटांसंबंदीचे म्हत्वाचे मुद्दे तांणी पालिका मंडळाचे नदरेक हाडून दिले. ह्या वेळार पालिकेच्या मार्केट समतीचे अध्यक्ष विराज फडके, संघटनेचे सचीव सिद्धेश राऊत, पांडुरंग सावंत, जितेंद्र फळारी, गितेश डांगी, वल्लभ मिशाल, राजेंद्र पेडणेकार हाजीर आशिल्ले.

हालींच वेपारी संघटनेची नवी कार्यकारिणी वेंचून काडल्या. वेपारी वर्गाग भेस्टावपी समस्ये संबंदी तांणी नगराध्यक्षाची भेट घेतली. वेपारी संघटनेने केल्ल्या सुचोवण्या प्रमाण समस्या सुटाव्यो करपाचे यत्न करपाचें उतर शुभांगी वायंगणकारान ताकां दिलां. हॉटेल शांतादुर्गा लागी आशिल्ल्या शौचालयाचें नूतनीकरण फुकट करून दिवपाचो प्रस्ताव एका खाजगी कंपनीन पालिकेक दिला. मात विरोधी पंगडांतल्या काय नगरसेवकांचो ताका विरोध आसा अशें वायंगणकार हिणे सांगलें. शौचालर ही एक सामकी गरजेची गजाल आशिल्ल्यान ताका विरोध करचो न्हय अशें तिणेव विरोधी नगरसेवकांकडेन मागलां.

घोडेमोडणींतलें रिंगण.

कोपाड्ड्यां जाली परंपरीक घोडेमोडणी

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

वाळपय: कोपार्डे हांगच्या शिगम्यांतली पारंपरीक घोडेमोडणी शेनवारा रातीं जोशान भरिल्लें वादनान उमेदीन जाली. ह्या वेळार व्हडा प्रमाणांत लोक हाजीर आशिल्ले. हे घोडेमोडणीक शेंकड्यांनी वर्सांची परंपरा आसा. ह्या वेळार दोन घोड्यांचो अविश्कार पळोवपाची संद लोकांक मेळ्ळीं. शेनवारा सांजे रायतलें देवूळ हांका धर्मीक विधी उपरांत दोन घोड्यांच्या नाचाक सुरवात जाली. ब्राम्हणी महामाया देवस्थानांच्या प्राकारांत दोन वरां घोडेमोडणी उत्सव मनयलो.

धव्या आनी तांबड्या घोड्यांचो नाच हे सुवातेर जालो. हालीं वर्सांत ह्या घोडेमोडणीची प्रसिद्धी जावपाक लागल्ल्यान हेर गांवांतले लोकांनी ती पळोवपाक गर्दी केल्ली. दोन वरां घोड्यांचो नाच तशेंच दारादारांनी वचून पारंपरीक विधी करपी पेंडकार ही लेगीत ह्या उत्सवाची खेरीत अशी प्रथा आसा. ती गांवची अस्मिता आनी एकचार राखून दवोरपाचे नदरेन म्हत्वाची आसा.

सत्तरी तालुक्यांत जायत्या गांवांनी घोडेमोडणी जाता. मात कोपार्डेंतली घोडेमोडणी वेगळे तरेची आसात. अदूंचे घोडेमोडणीचे खाशेलेंपण म्हणल्यार तातूंत तरणाटे व्हड संख्येन वांटेकार जाल्ले. आमचे हें सांस्कृतीक दायज तिगोवन दवोरपाक जाय हे तरणाट्यांक आतां पटपाक लागलां आनी ताका लागून ते अंदूचे घोडमोडणीत वांटेकार जाले अशें गांवच्या ज्येश्ठ नागरिकांनी सांगलें.

आमोणकार आनी आरोंदेकार जीसीसीआय संचालकपदार

■ भांगरभूंय । पत्रक

पणजी: संजय आमोणकार आनी पल्लवी आरोंदेकार हांची गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्सच्या (जीसीसीआय) म्हासंचालक आनी संचालकपदार नियुक्ती केल्या.

संजय आमोणकार

पल्लवी आरोंदेकार

कॅमिकल्स आनी फर्टिलायझर उद्देगांत काम करपाचो 32 वर्सांचो अणभव आशिल्ले आमोणकार मॅकानिकल इंजिनियर आसात. भारतांतल्या सात मुखेल बंदरात आनी काम केलां. गोवा स्टेट एक्सर्ट ॲस्पेसल कमिटीचे ते वांगडी आसात. गोंय राज्य प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्या तंत्रीक सल्लागार मंडळांत ते आसात.

पल्लवी एच आरोंदेकारान 2009 वर्सा हिणे जीसीसीआयत पालवी संचालक म्हणून कामाक सुरवात केली. मुंबय तिणे एके भौशीक कंपनींत कॉर्पोरेट कम्युनिकेशन वेवस्थापक म्हणून काम केलां. जीसीसीआयच्या बुलेटिनाची ती संपादक म्हणून काम करता.

मिराबाग हांगा आयज शिवजयंती उत्सव

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

सांगें: मिराबाग, धडें हांका सांगें-केपें तालुक्या वतीन 27वो शिव जयंती उत्सव आयज (सोमार) जातलो. त्या निमतान दनपारां 4 वरांचेर मिराबागच्या श्रीकृष्ण देवळाकडल्यान शिवाजीच्या फोट्याक फुलां हार घालून मिरवणुकेक सुरवात जातली. ती कुडचड्यांतल्या शिवाजी चौकाकडल्यान मारुतीगड रस्त्यान आंबेडकर चौक, रेल्वे स्टेशन, सावड्डें हांगच्यान परत मिराबाग हांगा येतली. शिव मोगींनी व्हडा संख्ये मिरवणुकींत वांटेकार जावचे अशें आवाहन धनराज नायक हांणी केलां.

गोंयच्या विविध देवळांच्या समित्यांची निवड

साळ महादेव देवस्थानाची नवी कार्यकारिणी वेंचली

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

दिवचल: साळ हांगच्या श्री महादेव भूमिका देवस्थानाच्या राऊत आनी परब म्हाजनाची साबार बसका जावून नवी समिती फुडले भशेन विरोधा विणे वेचून काडली- अध्यक्ष- कालिदास राऊत, उपाध्यक्ष रवी बाबली राऊत, सचीव- विशाल परब, उपसचीव- पांडुरंग परब, भांडारी- पमोद मनोहर राऊत, उपभांडारी- रावजी चंद्रकांत राऊत, मुखत्यार- आदिनाथ परब, उपमुखत्यार- दत्ताराम शाबी परब.

सर्वसादारण बसकेक राऊत आनी परब म्हाजन आनी वेंचणुकेक उबे रावल्ल्या उमेदवारांचे समर्थक व्हडा संख्येन हाजीर आशिल्ले.

विमलेश्वर देवस्थान समिती अध्यक्ष रामनाथ प्रभुदेसाय

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

कें पें: रिवण हांगच्या श्री विमलेश्वर संस्थान कार्यकारी समितीच्या अध्यक्षपदार रामनाथ नारायण प्रभुदेसाय हांका विरोधाविणे वेंचून काडलां. म्हाजनांची सभा फाटल्या आयतारा विमलेश्वर सभाघरांत जाली. सांगे मामलेदार कार्यालयांतले कर्मचारी कृष्णा वेळीप निरीक्षक म्हणून हाजीर आशिल्ले.

हेर पदाधिकारी उपाध्यक्ष - नल्हर अरूणाचल रिवणकर, भांडारी - नारायण गोपाळकृष्ण प्रभुदेसाय जोड भांडारी- रोहिदास/तन्मय महेश प्रभुदेसाय, सचीव - दिगंबर रंगनाथ प्रभुदेसाय, उपसचीव- मधुकर नागेश प्रभुदेसाय, मुखत्यार,- महेश कृष्णनाथ रिवणकार, उपमुखत्यार,- जयंत व्यंकटेश प्रभुदेसाय.

सप्तकोटेश्वर देवस्थान समिती अध्यक्ष पृथ्वीराज सरदेसाय

■ भांगरभूंय । प्रतिनिधी

दिवचल: नार्वे हांगच्या श्री सप्तकोटेश्वर देवस्थान अध्यक्षपदार पृथ्वीराज (उदय) सरदेसाय हांका वेंचून काडलां. सचीव म्हणून राजाराम शेट दिवकार जाल्यार भांडारीपदार संजय सरदेसाय आनी ॲटर्नी म्हणून विश्वास सरदेसाय हांका वेंचून काडलां. हेर पदाधिकारी- उपसमिती उपाध्यक्ष- आनंद देसाय ,उपसचीव- विजय सरदेसाय ,उपभांडारी- अजय सरदेसाय, उपॲटर्नी- ब्रिजेश ससरदेसाय.

भांगरभूंय
लोकमानेंत लोकांची आवाज



भांगरभूंय, कोंकणी दिसाळ्याक फुडल्या जाग्यां खातीर

पत्रकार जाय

पणजी प्रतिनिधी

राजकी, समाजीक मळाचें ज्ञान गरजेचें. कोंकणी, मराठी, इंग्लिशीचेर प्रभुत्व. स्वतंत्र लेखन, भाशांतर करपाक येवचें. संगणकाचेर काम करपाक येवप सामकें गरजेचें. अणभवी, जनसंपर्क आशिल्ले व्यक्तीक प्राधान्य.

जायरात अनुवादक

कोंकणी आनी इंग्लिशीचें खोलायेन ज्ञान. संगणकाचें ज्ञान, देवनागरी टायपिंग येवप गरजेचें. कामाचो वेळ सांजवेळा 5.30 ते 10.30 मेरेन. वर्क फ्रॉम होम करूं येता.

प्रशिक्षणार्थी पत्रकार

कोंकणी, मराठी, इंग्लीशीचें ज्ञान, बातमेचें संपादन, अनुवाद येवप गरजेचें. देवनागरी टायपिंग, संगणकाचें ज्ञान आसल्यार बरें.

इत्सुकांनी आपलें नांव, फोन, ईमेल, पत्तो, फोटो आनी हेर गरजेचे म्हायती सयत (सीव्ही) आपले अर्ज 23 मार्च मेरेन सकयल्या ईमेलाचेर धाडून दिवचे.
ईमेल - hrbhaangarbhuin@gmail.com

लोकभाषेत लोकांचो आवाज

भांगरभूंय

To get the **Free PDF** copy of **भांगरभूंय** on whatsapp daily

Click here and join our official Whatapp Group.

log on to Bhaangarbhuin.com @Bhaangarbhuin

Facebook.com/Bhaangarbhuin